चतुरंगा



पुंडलीक नायक

शक्ति विनायक कला मंच, दिवाडी निर्मित -
'चतुरंगा' (2005)...






कलाकार :
रुपेश दिवाडकार,
निलेश म्हार्दोळकार,
दीपक च्यारी,
रमेश प्रियोळकार,
राजेश तारी
आनी मिनाक्षी नार्वेकार.



सरस्वती सांस्कृतिक मंडळ, रावण - सत्तरी निर्मित (2009) आनी संतोष शेटकार दिग्दर्शित प्रयोगांत - अशोक गावस, संतोष शेटकार, माधुरी शेटकार, निलेश म्हार्दोळकार आनी वासुदेव गावस.

चतुरंगा



पुंडलीक नारायण नायक
हांगेलीं रंगमाचयेर आयिल्लीं नाटकां

1) खण खण माती 1977
2) रक्तखेव 1978
3) राखण 1979
4) देमांद 1980
5) मुक्तताय 1980
6) सूर्यसांवट 1981
7) शबै शबै भौजन समाज 1981
8) सुरींग 1982
9) मनशाळी मोनजात (रुपांतरीत) 1982
10) पिंपळ पेटला 1984
11) श्री विचित्राची जात्रा 1986
12) दायज 1990
13) चैतन्याक मठ ना 1991
14) आत्मवंचना 1992
15) परिक्रमा 1993
16) दिश्टदौलत 1995
17) तकली तइडकी (रुपांतरीत) 1998
18) तिरंगी चक्राचक्री 1998
19) प्रेमजागोर 1999
20) शिरी रे शिरी! अधांतरी! 1999
21) काळजाची काणी 2000
22) प्रेमयुद्ध 2000
23) दिव्या दिव्या दिपत्कार 2000
24) अंता घरा भगवंता 2001
25) कांसुलो 2002
26) धनयां देंवचारा 2003
27) चित्र स्वयंवर 2003
28) सांगोड 2004
29) चतुरंगा 2005
30) कथा अस्तुरी 2008
31) फिंर्गी फटास 2011


* चत्राय : नाटकाच्या मुखावयलें वर्स नाटक रंगमाचयेर आयलां तें वर्स.

चतुरंगा

(दोन अंकी)

पुंडलीक नारायण नायक





CHYATURANGA Konkani Play
by PUNDALIK NARAYAN NAIK

प्रकाशन क्र. : 92

पयली उजवाडावणी : 2012

उजवाडावपी :
हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय, फोंडें,
गोंय : 403 401

छापपी :
हिरू नारायण नायक
रुतू ऑफसेट,
वळवय, फोंडें,
गोंय : 403 401

अक्षर जुळोवणी :
रिया ग्राफिक्स
ओल्ड-गोवा,
गोंय : 403 402

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल : ₹ 100/-

ISBN : 81-86488-92-8

नाना...

(हिरू नारायण नायक)

म्हजेवरी तुकांय बरोवपाची ओड आसली.

पूण बापायन तुकां दटायलो आनी तूं
थंयच थांबलो.

घडये बापायक, साहित्यांत एकूच 'दादा'
जाल्लो जाय आसलो!

पूण तुवें तुकां नाटकांतल्यान
अभिव्यक्त केलो.

– दादा

चतुरंगा रंगतना...

पंचतंत्र, हितोपदेश, सिंहासनबत्तिशी, वेताळपंचविशी, बृहत्कथा, कथा सरित्सागर आदि संस्कृत भाशेंतल्यो कथा ह्यो अद्भूत, लौकिक, नीतिकथा आसता. 'शुकबहात्तरी' तेच माळेंतलो एक ग्रंथ. बाराव्या शतमानान ताची रचना जाली असो अदमास आसा. 'शुकबहात्तरी' हें निखळ मनोरंजनाचें पुस्तक न्हय. तर त्यो चातुर्य कथा आसात. कठिण प्रसंगांतल्यान सुटपाखातीर बायलांनी जें चातुर्य दाखयलें, ताच्यो ह्यो कथा. ह्या पुस्तकांत वट्ट 72 कथा आसात.

कोणा काळार चंद्रकला नगरांत विक्रमसेन राजा राज्य करतालो. थंय हरिदत्त नांवाचो एक गिरेस्त सावकार रावतालो. ताचो पूत मदन, हो व्यापाराखातीर परदेसांत वता. हांगासर तागेली तरनाटी सुंदर बायल प्रभावती मदनाच्या विरहान व्याकूळ जावन परपुरुशा कडल्यान शरीरसूख घेवपाक तळमळटा. अशा वेळार, ह्या दुर्वर्तनापासून तिका कडेक काडपाक, विदग्ध चूडामणी नांवाचो शुक (किर) तिका सद्दां एक ह्या प्रमाण 72 कथा सांगता. तो मेरेन परदेसांत गेल्लो तिचो घरकार परत येता. अशा ह्या 72 कथांचो संग्रह 'शुकबहात्तरी'.

'चतुरंगा' नाटकाखातीर तातुंतले पंदरावे कथेचो आदार घेतला. ती कथा सादारण अशी – गुणाकाराची बायल श्रीदेवी हिचे सुबुद्धी नांवाच्या परपुरुशाकडेन संबंद आसता. एकदां सुबुद्धीकडेन तिचो संबंद येतना तिचो मांव तिका पळयता. पूण श्रीदेवी आकांत करून आपणांक कोणेच परपुरुशान केन्ना स्पर्श लेगीत करूना म्हण बासता. तेन्नाचे प्रथेप्रमाण यक्षमूर्तीच्या दांगे पोंदच्यान वचपाचें दिव्य करपाक ती तयार जाता. हरशीं कोणूच असत्यवादी हें दिव्य करपाक शकना. श्रीदेवी दिव्य करपाचें थारायता ताच्या आदले दिसा श्रीदेवी सुबुद्धीक मेळटा आनी ताका सांगता, "फाल्यां पिश्याचें सवंग घेवन म्हाका आफुड." दुसऱ्या दिसा गांवच्या लोकांमुखार यक्षमूर्तिच्या दांगे पोंदच्यान वचपाचें दिव्य जावपाचें आसता, ज्यूस्त त्यावेळार एक पिसो येवन श्रीदेवीक आफुडटा. लोक ताका (सुबुद्धीक) पिसो समजून थंयसावन धांवडावन घालता. श्रीदेवी सगळ्यांक लेखून म्हणटा, "म्हजो घरकार आनी हो आतांचो पिसो सोडून हेर केन्नाच कोणे म्हाका स्पर्श करूंक ना." अशें म्हणून ती मूर्तिचे दांगे पोंदसून वता. तिगेलें चातुर्य पळोवन यक्षमूर्तिय अजापीत जाता. हाजीर

आशिल्ले सगळे लोक 'पतिव्रता' म्हणून श्रीदेवीचो गौरव करता.

तशें पळोवपाक गेल्यार 'शुकबहात्तरी'तल्यो सगळ्यो कथा ह्यो बायलांच्या शिटूकसाणेच्यो, धूर्तपणाच्यो, प्रसंगावधानाच्यो आसल्यो तरी नितिचे कसवटेचेर त्यो व्यभिचाराच्यो कथा थारतात. पूण आमचे सामाजिक जीणेंत तांकां सुवात आशिल्ली ही खरी. एकेपरीन आमचे दुसरे वा सुप्त जीणेचें तें पडबिंब आशिल्लें.

हांवें मूळ कल्पनेचो आदार घेतला खरो पूण म्हज्या नाटकांतली नायिका चतुरा हिका व्यभिचारी दाखोंवक ना. ती आपल्या मोगीकडेन सामकी प्रामाणिक दाखयल्या. मोगा खातीर दोगांय दुसऱ्यांकडेन कशीं तड्डकां करता तें नाट्यपूर्ण रितीन मांडपाचो यत्न केला. तशी ही एक प्रेमकथाच.

कितेंय जांव, आमगेलें पूर्विल्लें कथाभांडार कितलें विपुल आनी विविधतायेन भरिल्लें आसा म्हणपाची ही एक देख.

'चतुरंगा' हें म्हगेलें एकूणतीसावें नाटक.

– पुंडलीक नारायण नायक

'चतुरंगा' नाटकाचो पयलो प्रयोग, शंक्ति विनायक कला मंच, दिवाडी हे संस्थेन ता. 12 ऑगस्ट 2005 दिसा सा. 7.00 वरांचेर, सार्वजनीक गणेशोत्सवांत, कोडली-तीस्क सावड्डें हांगासर सादर केलो.

श्रेय नामावळ

1. **मदन**	:	रुपेश दिवाडकार
2. **घोवयो**	:	निलेश म्हार्दोळकार
3. **बेबदो दा**	:	दीपक च्यारी
4. **गुरव**	:	रमेश प्रियोळकार
5. **कांकणकार**	:	राजेश तारी
6. **चतुरा**	:	मीनाक्षी नार्वेकार
7. **निद्रादेवी**	:	आरती पेडणेकार
दिग्दर्शक आनी नेपथ्य	:	संतोष शेटकार
संगीत	:	साईनाथ देशपांडे
प्रकाश येवजण	:	धनंजय फाळकार

देखाव - पयलो

(पार्श्वभागाचेर शिर्शकगीत.)

जुनीच काणी नव्यान रंगता
प्रेम जीवांची गाथा
ही चतुरंगाची कथा
ही चतुरंगाची कथा ।।

कोण कोणाची लायता वाट
कोण कोणाची मारता गांठ
तकले अकलेचो घालून मेळ
चतुरा उज्यांत न्हाता ।।

(गीत सोंपतां सोंपतां माची उजळटा. माचयेर दिसता - एका देवळाचो देखाव. पोरणे मोदीच्या देवळाचे गर्भकुडीकडलो भाग. मखरांत देवी आसा. ही निद्रादेवी. ती उब्या उब्यानीच न्हिदल्या. घोरेता. मदीं मदीं कांदे जोखता (डुलकी घेता.) काळ आर्विल्लो न्हय, खंयचो तरी आदलो. पात्रांचो भेस त्या काळाक सोबसारखो. थोड्या वेळान गुरव भायर येता. हो देवळाचो पुजारी. पन्नाशेक वर्सांचे पिरायेचो. ताच्या एका

हातांत पुजा साहित्य आसा जाल्यार दुसऱ्या हाताचे मुठीक पेट्टी विडी आसा. तो हेवटेन तेवटेन लकता. तो सोरो पियेला. भायर भितर वचून सामान एकठांय करता. पार्श्वभागाचेर कसलेतरी पारंपारीक आरतीची धून वा तसलेंच कसलेंतरी वाद्यसंगीत. इतल्यान भायरसावन चौगा जाणां येतात. तातूंत एकलो घोवयो, चाळीशेक वर्सांचे पिरायेचो. दुसरी चतुरा, पंचविशेक वर्सांचे पिरायेची. तिसरो बेबदो दा, हो पन्नाशेक वर्सांचो. हो चतुराचो बापूय. तिसरो मदन रंगा. पंचविशेक वर्सांचो तरनाटो. मदन रंगा आनी चतुरा एकामेकाचीं मोगी. पूण बापूय बेबदो दा चतुराचें लग्न घोवयाकडेन बळजबरीन करपाक सोदता. बेबदो दा चतुराक भरभरीत ओडीत हाडटा. ताच्या हातांत दांडो आसा. ताच्या वांगडा घोवयो आसा. फाटल्यान दडत दडत मदन रंगा येता.)

चतुरा : दा, दा हें तूं कितें करता? बळजबरीन म्हाका खंय व्हरता?

बेबदो दा : ब–ब– बळजबरी बी कांय ना. आतां तुजी गांठ हाचेकडेन.

चतुरा : गांठ? कसली गांठ?

दा : जल्माची गांठ.

चतुरा : जल्माची गांठ? कोणांकडेन?

दा : ह्या घोवयाकडेन. आतां होच तुजो घोव.

चतुरा : कितें?

घोवयो : (विचित्र तरेन हांसता.)

चतुरा : (किळांचून) आवय गेऽऽऽ

(बेबदो दा आनी घोवयो एकमेकाक कुरवांनी खुणायतात आनी एके कुशीक येतात. तेसरशीं चतुरा आनी मदन रंगा दुसरे कुशीक वचून एकठांय येतात.)

घोवयो : (दुडू दीत) सोयरीगतीच्या वेळार तुकां पांच इसो आनी पांच इसो करून दोन पांच इसो दिल्ल्यो.

दा : बरोबर.

घोवयो : आनी उरलेल्यो ह्यो तीन पांच इसो. आतां वेवहार सोंपलो.

दा : वेवहार सोपूं पूण नातें उरतलें काय ना?

(घोवयाक आनीक कितें कितें सांगपाचो यत्न करता. दुसरेवटेन मदन रंगा आनी चतुरा उलयतात.)

चतुरा : मदन रंगा, हांव कितें करूं? म्हज्या बेबद्या दान म्हजो विश्वासघात केलो. पोसलेले गायेक खाटकाक विकची तशें ताणें म्हाका विकलें. हांव कितें करूं, तें सांग.

मदन : तुजो कसलो गुन्यांव ना चतुरा. हांवच अभागी! हांवच कपलफुटको! हांव तुज्या बापायकडेन तुजी सोयरीगत घेवन वचपाक पावलों ना. तितली तांक ना जाली म्हाका. हांव दळिद्री.

चतुरा : ना. अशें म्हणूं नाका. तुजेसारखो गिरेस्त मनीस संवसारांत दुसरो ना. तुज्या काळजांत मोग आसा तो दुसरेकडेन खंयच ना.

मदन : कितें उपेग त्या मोगाचो?

चतुरा : ना. मोग भांगराच्या नाण्याभशेन. तें नाणें चल्लें ना तरी लेगीत ताचें मोल उणें जायना.

मदन : असले परिस्थितींत तूं कितल्या धीरान उलयता चतुरा.

चतुरा : (निश्चेवान आपलेभितर) बेबद्या दा, बळजरीन म्हाका विकता? ह्या चतुराक? हांव फक्त नांवाची चतुरा न्हय. पळयशित तूं मदन रंगा!

(तिवटेन बेबदो दा आनी घोवयाचें उलोवणें चालू)

दा : पळयशीत तूं घोवया. म्हजी धूव तुजें अशें आनी तशें न्हय, बऱ्यापैकीं कल्याण करतली. फक्त तुजी बायल न्हय तर तुज्या हड्ड्याची दावी बोर जावन रावतली. एक लक्षांत दवर, म्हजी धूव एका उतराची आनी एका तत्वाची. ती तुकां केन्ना म्हण अंतर दिवची ना.

(हांगा थय पळयता. चतुरा म्हऱ्यांत ना. दांडो घेवन हेवटेन

तेवटेन पळयता. कुशीक दिसता. थंय वता. मदन रंगाक दांड्यान धपकायता. तो भियेवन कुशीक सरता. घोवयाक ओढून हाडून चतुराकुशीक दवरता.)

चतुरा : (रागान) दा, हांव तुका वगी रावचें ना.

दा : पळोवया, पळोवया. वगी रावचें ना खंय! (घोवयाक) आनी हें पळय, आतां तुजी गांठ बांदतली. लग्नाआदलीं घोवयेपणां आतां चलचीं ना. तुकां दादल्याभशेन दादलो जावंचो पडटलो. सगळ्यांचेर बारीक बरें लक्ष दवरचें पडटलें. म्हजे धुवेची हांव तुका शंबर टक्के खात्री दितां. पूण परिस्थितीची खात्री म्हज्यान एक टक्को लेगीत दिवं नजो. (समजायत) तुजे निद्रादेवीक बरें सांगणें कर. तुमगेलें दैवत बरें खर आसा. एकदां मारलेली गांठ ती सोडोवंक नकळो. तेचखातीर म्हजी धूव तुकां दिल्या. हांव चल्लों. म्हजे आशिर्वाद तुमकां.

चतुरा : चुट्टी लायली तुज्या आशिर्वादाक.

दा : (घोवयाक) मातशें आवयचें आयलां. तिवूय अशीच अर्दीमर्दी खंकाळ जाताली. म्हज्या लग्नावेळार हाचे आवयन असोच तमाशा केल्लो. पूण मागीर एकदां गांठ बसतकूच सगळें वेवस्थीत जालें. सरळ. (लकता. याद करून.) वयचे आदीं आनीक कितें सांगतालों जाणां? पाड पडली यादीक. आं. दोगांकूय आशिर्वाद! ना. ना. ताका लागली चुट्टी. तर हांव आतां वतां. पूण भर्दी मर्दी येवपी तुगेर. (चतुराक) तुजे न्हय पूण म्हज्या जांवयाचे खबरेक. तसो मर्दी मर्दी लागतलोच तूं म्हाका. (याद जाता.) आतां याद जाली. (घोवयाक) तर ही म्हजी धूव दिली तुकां आनी धुवेबरोबर हो दांडो तुकां. बक्षीस! आहेर!

घोवयो : दांडो? दांडो कित्याक?

दा : कपलार मारपाक. दांडो कित्याक? म्हाका विचारता?

घोवयो : मागीर आनीक कोणांक विचारूं?

दा : ह्या दांड्याक विचार.

घोवयो : दांड्याक?

दा : (फकाणां मारुन) घोवयो खयचेकडलो!

घोवयो : (समजून) आं, आं. समजलें! (हांसता)

(तेवटेन गर्भकुडीकडेन गुरव देवीची आरत सुरू करता. आरती आदीं गुरवान देवीच्या आंगार पानांनी उदक शिंपडायलां. गळ्यांत फुलांची माळ घातल्या. बेबदो दा कूस मारता. मदन रंगा आंग चोरून कडेक रावता. घोवयो चतुरा हात जोडून उबीं रावतात.)

आयदन–वादन धाडय बडय
निद्रादेवीक जागय जागय।।
उठ गे माये उठ गे उठ

शरण तुकां आडकां–बोडकां
दर्शन सत्वर दी आमकां
आनीक पळोवशी कितलो अंत
भक्ताखातीर न्हीद खळय।।
उठ गे माये उठ गे उठ

तुजी न्हीद आमची दैना
सदांच जिणेक जैपत ना
जाल्या घडी वांकडी–तिकडी
परतून हातान रथ घडय।।
उठ गे माये उठ गे उठ

(आरतीच्या आवाजान देवी न्हिदेंतली जागी जाता. जांबयो दिता.)

देवी : (उलो मारून) गुरवाऽऽ ए गुरवाऽऽ

गुरव : देवी, हांव हांगाच आसा.

देवी : कित्याक बोबो मारता?

गुरव : देवी, बोबो, कसल्यो? आरत ती.

देवी : ती मातशी ल्हवू म्हणपाक जायना?

गुरव : ना देवी.

देवी : कित्याक?

गुरव : तूं न्हिदेंतल्यान उठपाक जाय न्हय?

देवी : म्हाका कित्याक उठयली? (मदींच वास घेत) कसली घाण येता?

गुरव : (तोंड लिपयत) देवी घाण न्हय, वास तो.

देवी : कसलो वास?

गुरव : तुज्या देवळांत आनी कसलो वास येतलो? धुपाचो- उजवातींचो.

देवी : ना. हो ताचेपरस वेगळो. तूं लागीं येतकूच तो येता.
(गुरव तोंड लिपयता.)
सांग, म्हाका कित्याक उठयली?

गुरव : देवी, गरजेभायर तुका कोण उठयता?

देवी : कसली गरज? आनी म्हाका भूक लागल्या.

गुरव : निवेद्य तयार आसा.

देवी : हाड, हाड, हाड.

गुरव : ना देवी, हाडाचो निवेद्य ना. तो फक्त भायल्या देंवचाराक. तुकां देवळांत शुद्ध-शिवराक निवेद्य.

देवी : तें हाड न्हय रे बाबा. निवेद्य हांगासर हाडून दवर अशें म्हणलें हावें.

गुरव : ना. भक्तांचें काम जातकूच मागीर निवेद्य.

देवी : तोमेरेन हांव उपाशीं रावूं?

गुरव : उपाशीं कित्याक? काम कर. निवेद्य खा.

देवी : गुरवा, तुजें चडूच जालें.
गुरव : माफ कर देवी, नेमाप्रमाण हांव वागतां.
देवी : बरें आसा. (आड्डत) बरें आसा. वाग, वाग.
गुरव : (भियेत) वाग? खंय आसा वाग?
देवी : आरे बाबा, वाग म्हणल्यार वागोबा न्हय.
गुरव : आं, आं.
देवी : पळयिल्लेभितर तूं भानार ना कसो दिसता. व्हदळच्या वासाचो अर्थ आतां म्हाका समजलो. (आंग खोरजीत) एक सांग, हें म्हजें आंग खोरजता कशें?
गुरव : (अनमनता) म्हाका खबर ना देवी.
देवी : तुवें म्हज्या आंगार कितें शिंपडिल्लें?
गुरव : तीर्थ देवी. न्हाण घातिल्लें तुकां.
देवी : कसलें तीर्थ?
गुरव : हें तांबयांतलें तीर्थ देवी. पाणट्यार सावन तांबयो भरून हाडलेलो.
देवी : उदकांत आनीक कितें घातिल्लें बी?
गुरव : पानां. उदक शिंपडपाक.
देवी : कसलीं पानां?
गुरव : (वगी रावता.)
देवी : आरे, कसल्या पानांनी तीर्थ शिंपडायिल्लें म्हजेर?
गुरव : खातकुतल्याच्या पानांनीं.
देवी : तरी म्हणटां, खोरजता कशें?
गुरव : देवी, म्हाका माफ कर.
देवी : माफ करतां. पूण असल्यो चुको करप?
गुरव : देवी, तीं पानां चुकून घालूंना.
देवी : म्हणजे?
गुरव : मुद्दम घातल्यांत
देवी : मुद्दम? आनी तोंड घेवन वयल्यान सांगता?
गुरव : हय देवी. म्हजो बापूय म्हाका हें शिकोवन गेला. खातखुतल्याच्या

पानांनीं तुकां न्हाण घालतकूच तुजें आंग खोरजता आनी तूं जागृत उरता.

देवी : पुरो. पुरो. म्हजे न्हिंदेमुखार तुजो हो उपाय चलपाचो ना. बापूय शिकोवन गेला खंय! बापायन आनीक कितें कितें शिकयलां? (पिवपाचें) हेंवूय बापायनूच शिकयलां?

गुरव : ना देवी. ती विद्या हांव म्हजे हांवूच शिकलां.

देवी : (चत्रायेन पळयत) आनी एक सांग, ही म्हज्या गळ्यांत फुलांची माळ घातल्या काय हुमल्यांची?

गुरव : फुलांची देवी!

देवी : मागीर हे हुमले खंयचे?

गुरव : फुलांवयले देवी.

देवी : म्हज्या गळयांत घालचेआदीं मातशी फाफुडची तरी आसली.

गुरव : देवी फाफुडल्यार हुमले म्हजेर पडटले आसले. हांव सादो मनीस. तूं देवी, तुज्यान सोसूंक जाता तें म्हज्यान कशें सोसूंक जायत?

देवी : खूब शाणो जाला. बापायच्या मुखार पावला.

गुरव : तुजे आशिर्वाद देवी!

देवी : पुरो पुरो. सांग कसल्या कामाखातीर म्हाका उठयल्या?

गुरव : गांठीखातीर.

देवी : कसल्यो गांठी? आयज निवेद्याक गांठी आसात?

गुरव : त्यो तसल्यो गांठी न्हय देवी, लग्नाच्यो गांठी.

देवी : आजून लोक गांठी मारून लग्नां करतात?

गुरव : भायल्या देशांत गांठी मारतात, तोडटात काय सोडटात तें खबर ना. पूण आमच्या मायदेसांत आजून गांठी मारतात. आनी देवी, गांठी मारपाचे बाबतींत तुजी महीमा व्हड! तुवें मारलेली गांठ कशीच तुटना. म्हणून भक्त तुजेकडेन येतात.

देवी : (खोशी जाता.) निवेद्याक कितें आसा?

गुरव : पांच जिन्नस आसात. मातशें हें काम कर. निवेद्य हजर करतां.

देवी : (निरशेता) बरें आसा. देवी हांव. मनशाभशेन अधाशी न्हय. चल, कोण आयल्यांत तांकां गांठी मारचेआदीं चत्राय दी.

गुरव : जशी तुजी आज्ञा देवी. (दोगांकूय) दोगांय अशीं मुखार येयात.

(तीं मुखार येतात. गुरव मातसो कुशीक वता. बाटली तोंडाक लायता. रोखड्यारोखडो परत येता. दोगांकूय समजावणी दिता.)

गुरव : आयकात. कान धांपून आनी दोळे उक्ते करून आयकात. ना, ना. दोळे धांपून आनी कान नीट उक्ते करून आयकात. निद्रादेवीची आज्ञा. निद्रादेवी बऱ्याक बरी तितलीच वायटाक वायट. पयलीं ब्रह्मदेव सर्गांत गांठी मारतालो आनी मागीर धर्तरेचेर लग्नां जातालीं. पूण आमचे देवीन पत्कर घेतपासून देवी गांठीय हांगासरूच मारता आनी लग्नांय हांगाच जुळयता. पयलीं कानांतल्या कानांत – ना, ना. पयलीं मनांतल्या मनांत तुमी देवीची प्रार्थना करात. निद्रादेवी एक जागृत देवी आसा हें तुमी लक्षांत धरात. (तेवटेन देवी न्हीदपाक लागल्या.) देवी हांगासर तुमच्यो गांठी बांदतली मागीर तुमी लग्न न्हालीं अशें जालें. एकामेकाकडेन तुमच्यो गांठी बसतकूच तुमी एकामेकाक प्रामाणीक रावचें पडटलें. घोवान तशें बायलेन. हाचे ताचेकडेन नाचरेपणां करपाक फावना. दोगांमदल्या जर कोणेंय अशें केलें जाल्यार देवी ताचो निवाडो करतली. दोगांकूय देवीमुखार प्रमाण जावचें पडटलें. ह्या निवाड्यांत जो निर्दोश आसा ताका देवी आपले तरसादीन हाणटली आनी जो दोशी आसा ताच्या माथ्यार फुलांचो शिंवर करतली. ना, ना. जो दोशी आसा ताका तरसादीन हाणटली आनी जो निर्दोश आसा ताचेर फुलांचो शिंवर करतली. तुमकां मान्य आसा?

(घोवयो हय म्हणून मान हालयता. तेवटेन मदन रंगा चतुराक ना म्हणपाक खुणायता. चतुरा ना म्हण मान हालयता पूण गुरव तांचेकडेन सारखें लक्ष दिना. ताका लागलां. तो तसोच देवीम्हऱ्यांत वता.)

गुरव : (आइ्डत) देवीऽऽ

देवी : (आंग काडून जागी जाता.) केद्यान आइ्डता रे?

गुरव : मुद्दाम आइ्डतां.

देवी : तोंड घेवन सांगता पळय कसो. हेंवूय बापायन शिकयलां? देवीचेरूच तापता.

गुरव : गुरवाचें कामूच तें. तुजेकडेन शांतपणान उलोवपाक हांव कोण भट - ब्राह्मण न्हय. गुरव हांव गुरव.

देवी : बरें आसा. ताप, ताप.

गुरव : हांव तापतां ताका कारण आसा. भक्तांमुखार जर तूं अशो न्हिदो काडपाक लागली जाल्यार भक्तांचो तुजेवयलो विश्वास ना जातलो. लोक देश-गांव बदलता, घरां-दारां बदलता तशे देवूय बदलपाक फाटीं नात. तुज्या पायांकडेन येवपाचे लोक उणे जालें जाल्यार मागीर तुकां निवेद्य खंयचो? म्हजी तान भूक खंय भागपाची? देवी, म्हणून तुजेर तापलों. बाळकाक माफ कर.

देवी : केलें, माफ केलें. सांग.

गुरव : भक्तांक तुजी आज्ञा मान्य आसा. तीं दोगांय गांठी मारपाक तयार आसात.

देवी : तरी लेगीत तांकां जर मनांतलें कितेंय सांगपाचें आसत जाल्यार सांगू दी. त्या कट्टोणान म्हजेकडेन उलय म्हणजे.

गुरव : बरें आसा. आतां तो कट्टोण सोदून हाडचो पडलो ना. (हांगा - थंय सोदता. ल्हवूच कुशीक वचून बाटली तोंडाक लायता. दोन कट्ट्यो सोदून हाडटा. तांकां मदीं दोर बांदला. हो आदल्या काळावयलो फोन)

गुरव : (दोगांकूय) देवीन तुमकां आज्ञा दिल्या, जर तुमकां कितेंय मनांतलें सांगपाचें आसत आनी दुसऱ्या अस्वडीं सांगपाचें आसत जाल्यार तुमकां ती मेकळीक आसा. (घोवयाक) तुकां देवीक तुज्या मनांतलें कितेंय सांगपाचें आसत जाल्यार सांग.

(एक कट्टी देवीच्या हातांत दिता आनी दुसरी कट्टी घोवयाच्या

हातांत दिता. मदली दोरी ताठ उरता.) घे.

घोवयो : ना, ह्या कट्टोणांत म्हाका उलोवपाक कळना. तोंडाकडेन धरून उलयल्यार तातूंत सगळी निथू भरता.

गुरव : जाता खरें तशें. (ल्हवूच, देवीक आयकूंक येवचेंना अशा अदमासान.) तूं कट्टोणांत ना उलयिल्लो बरो.

घोवयो : आनी म्हज्या मनांत आनींक कांय ना.

गुरव : कांय ना?

घोवयो : कांय ना म्हणजे मनांत फक्त चतुरा आसा. देवीन आमची गांठ बांदची.

गुरव : (चतुराक) बाये, तुकां तुज्या मनांतलें देवीक कितें सांगपाचें आसा? ना न्हय?

चतुरा : आसा.

गुरव : घे तर. सांग.

(चतुरा कट्टोण एका हातांत घेवन उलयता, दुसरेवटेन कट्टोण देवी कानांक लायता. उलयता ताणें कट्टी तोंडाकडेन धरून उलोवप आनी उलोवणें सोंपतकूच 'खो' म्हणून कट्टी कानाकडेन लावप. तेवटेनूय तशेंच. हॉकी-टॉकीचे पद्धतीन. 'ऑव्हर'चे सुवातेर 'खो'.)

चतुरा : देवी, हांव चतुरा उलयतां. खोऽ

देवी : उलय बाळक. हांव देवी उलयतां. खोऽ

चतुरा : देवी, तुजेकडेन एक मागणें आसा. खोऽ

देवी : सांग बाळक सांग. तूं सांगत राव. मदीं मदीं खो घालूं नाका. कितें सांगपाचें आसा तें एका दमान सांगून वडय. तुजो प्रश्न सोडयलेबगर हांव निवेद्याक तोंड लावपी न्हय. उलय आं. उलय. (आतां तेवटेन देवीन कट्टोण कानांक लायला आनी हेवटेन चतुरा कट्टोण तोंडाक लावन उलयता. उलयताना मदीं मदीं मदन रंगाक पळयता. घोवयो आनी गुरव कुशीक उबे आसात. गुरव वेळ मेळटा तशें आपलें काम करता. आयकतां आयकतां देवीक झेम येता. ती लकता.)

चतुरा : देवी, आनीक कोणायकडेन फट मारूं येता. तुजेकडेन कशी

फट मारूं? हो म्हजे म्हऱ्यांत जो घोवयो उबो आसा, ताका हांवें जल्मांत पळोवंक ना. अकस्मात हांव ताचेकडेन कशें म्हण लग्न जावं? आनी देवी, तुंवूय एक बायलमनीस, तुकां म्हज्यो भावना बेसबऱ्यो कळटल्यो म्हणून तुजेकडेन मन उक्तें करतां. हांवें मनांतल्यान एकल्या मनशाक वेंचून काडला. ताचेशिवाय हांव दुसऱ्या मनशाचो विचारच करूंक शकना. देवी, आयचे घडकेक इतलेंच कर. म्हजी गांठ ह्या घोवयाकडेन कशीच मारूं नाका. हांव तुज्या पांयार घालून घेतां. म्हाका खात्री आसा देवी. तूं म्हज्या मनांतलेंच करतली. दुसरें विपरीत अशें कांयच करची ना. खोऽऽ खोऽऽ

(तेवटेन देवी भानार येता. इतलो वेळ चतुरा कितें उलयल्या तें तिणें सारखें आयकूंक ना. ती गडबडटा. आनी कट्टोण तोंडाक लावन 'तथास्तु' अशें म्हणटा.)

देवी : (आड्डत) गुरवा, गुरवाऽऽ

गुरव : देवी, हांव हांगाच आसा.

देवी : जालें. तांच्या मनांतलें हावें आयकलें. आतां दोरयो हाड. गांठी मारुंया.

(गुरव पयलीं कट्टोण कवळून दवरता. बेगीबेगीन वेंतभर लांबायेच्यो दोन दोरयो हाडटा.)

देवी : चल, तांचेभोंवतणीं हुंवाळून काड.

(गुरव एक दोरी घोवयाचे तकले भोंवतणी जाल्यार दुसरी दोरी चतुराचे तकले भोंवतणी उंवाळटा.)

गुरव : (दोरयो दीत) घे देवी. दोनांय दोरयांची बरी घट गांठ मार. निसरगांठ बी मारशी.

(देवी बरी घट गांठ मारता. तेसरशीं घोवयो आनी चतुरा शिरशिरता. तेवटेन मदन रंगाय शिरशिरता.)

देवी : पंचविशेक वर्सांतरी कशीच धील पडपाची ना.

गुरव : तितलींच वर्सां घट उरल्यार पुरो. मागीर मुखार भंय ना.

देवी : घे. वयर माळ्यार वडय. गरज पडटा तेन्ना हाताक लागपाक जाय.

गुरव : म्हाका दिसना गरज पडतशी.

(दोगांकूय) चलात, तुमचें काम जालें. तुमचे देवीन तुमची सामकी घट गांठ मारल्या. तुमी आतां घोव-बायल जालीं. चलात, मौजो मारीत संवसार करात.

(घोवयो खोशी जाता. गुरवाच्या हातार पैशे तेंकयता. चतुरा काचाबूल जाता. मदनूय काचाबूल जाता. घोवयो चतुराक भरभरीत ओडीत व्हरता. मदन रंगा तांचेफाटल्यान दडत-लीपत वता.)

देवी : आतां आनीक कितें उरलां?

गुरव : तें तितलें निवेद्याचें उरलां.

देवी : मागीर कळाव कित्याक? निवेद्य बेश्टोच खावं काय ती निवेद्याची आरत बी म्हणटलो?

गुरव : हय तर. सगळें साग्र संगीत जावं दी. तूं तुजें काम कर हांव म्हजें काम करतां.

(देवीच्या हातांत निवेद्याचें ताट दिता आनी आपूण आरत म्हणपाक लागता)

साऽऽ जालें साऽऽ देवी
साऽऽ जालें साऽऽ

बका बका खा गे देवी
बका बका खा।

न्हिदे भरमस जा गे देवी
न्हिदे भरमस जा।

सासाय तुजी वा गे देवी
सासाय तुजी वा।

(काळोख)

देखाव – दुसरो

(घोवयाचें घर. घराचो फुडलो भाग तसोच मागीलदारचो कांय भाग दिसता. भायर आंगण. भौतेक चलता तें सगळें आंगणांत. ल्हवू ल्हवू उजवाड जाता. भायर आंगणांत घोवयो एकलोच आसा. हातांत दांडो आसा. हांगा थंय चत्रायेन पळयत पासयो मारता.)

घोवयो : (नदर मारीत) कोण रे थंय? त्या ओट्टांत कित्याक दोट्टा? वासरूं काय पोसरूं रे? पाडो काय रेडो रे? थंय चरता काय गरयता रे? झूर थंयचो. (परत पासय मारता.) कोण रे थंय मागीलदारावट्यां? काळो सुणों काय धवो बुकलो रे? उश्टें खावंक आयला? हाडकां काय बोडकां? झूर थंयचो. नातर ह्या दांड्यान तुजी कळपुटी करतलों. (एकेवटेन नदर मारीत) हो तो कोण रे तर्पाशोर? मार्गांतल्यान वचपाक कळना नीट? परत परत फाटीं वळून पळोवपाची ही कसली रीत? फाटल्यान शेणलां कितें? मांयचें मिदें? सरळ वच मुकाट्यान, नातर दांडो येतलो फाटल्यान.

(मुखार येवन) सकाळ ते सांज मेरेन हें अशेंच चलता. रातचे मागीर दुसरे प्रकार. तराभासांचीं संवंगां घेवन म्हज्या घराभोंवतणयां हे भोंवत आसता. चतुरा खातीर. चतुराचो हांव घोव.

(भितरल्यान बेबदो दा चो आवाज)

दा : घोव न्हय घोवयो.

घोवयो : चतुराचो हांव घोव.

दा : घोव न्हय घोवयो.

घोवयो : (नेटान) हांव घोव! घोव! घोव!

दा : तूं घोवयो! घोवयो! घोवयो!

घोवयो : म्हाका तुज्या हलकटाच्या तोंडाक लागपाचें ना.

दा : (लकत लकत भायर येत) ए, ए, जांवया, कोणांक हलकट म्हणटा? तुज्या मांवाक?

घोवयो : (चुकी जायत) आरे, बेबदो दा? तूं?

दा : हय हांव. पूण बेबदो दा न्हय फक्त दा. चतुराचो दा आनी तुजोय बी दा.

घोवयो : चतुराचो दा न्हय? बरें आसा. आयलो तें बरें केलें.

दा : बरें केलें म्हणजे? गांठी मारपाच्या दिसाच हांवें सांगूंक नासलें तुका? अदीं मदीं हांव तुजे खबरेक येतलों म्हण? आनी हेंवूय सांगूंक नासलें, म्हाका, तूं अदीं मदीं खबर घेवपाक लागतलो म्हणून?

घोवयो : सांगलेलें खरें.

दा : आं. देखून हांव तुजे खबरेक आयलां. फक्त तुजे खबरेक. चतुराचे न्हय. ताची खबर घेवपाक तें समर्थ आसा. हांव फक्त तुजी खबर घेवपाक आयलां. आयच्यान तुमचे गांठीक कितले दीस जाले? तूं दीस मेजीना दिसता. फक्त रातीच मेजता.

घोवयो : हय. राती मेजतां खरो. गांठी बांदिल्ल्याक आयच्यान छत्तीस दीस जाले.

दा : छत्तीस! पाडा पडूं! ह्या आंकड्यांक हांव थर्त भियेतां. सांग, कसो चल्ला तुजो संवसार?

घोवयो : संवसार चलना. मोडून पडला.

दा : म्हणजे रे बाबा?

घोवयो : कोळे हुंदरांनी म्हजें सगळें घर पोखरलां.

दा : अशें? दांडो दिल्लो मरे तुकां.

घोवयो : तो दांडो आतां म्हज्याच कपलार मारतां.

दा : तशेंच म्हणिल्लें तुकां.

घोवयो : ते तसले कोळे हुंदीर न्हय. ते म्हाका घोवयो घोवयो म्हणून चाळयतात ते. तांचेमदले कितलेशेच जाण हांगासर वट्टा-बुट्टांत आनी आंगणां-पोरसांत भोंवर कशें घुंवत आसतात. पयलीं हांव तुकां तातूंतलोच समजलों आनी तुकां हलकट म्हण गाळ मारली.

दा : (अनवधानान) बरें केलें.

घोवयो : आपलें नाणें खोटें आसतकूच हें अशेंच जावपाचें.

दा : तुजें नाणें खोटें! तुवें दिल्ले सगळे पैशे चल्ले.

घोवयो : तीं नाणीं न्हय. हें हें गळ्याक पडलां तें नाणें. चतुरा. तुजी धूव.

दा : आतां ती तुजी बायल. तुवें आनी तिणें कितें तें पळोवन घेवपाचें. म्हाका मदीं घालूं नाका. म्हाका मदीं घातल्यार म्हजी चटणी जातली.

घोवयो : तशें जाल्यार तूं कित्याक आयला हांगा?

दा : खबरेक जांवयाचे खबरेक.

घोवयो : आनींक कसली खबर? तुजो जांवय पळय आतां हांगा राखणेक बसला.

दा : राखणेंक? कसली राखण? गोरवां वासरांची?

घोवयो : ती राखण जाल्यार उमेदीन करतलो आसलों. पूण ही आपलेच बायलेक राखपाची राखण. एक नंबरची फटींग. कशीच बदना. आत्यांचें पर्ते करता. खऱ्याचें करता खोटें, दाव्याचें करता उजवें आनी काळ्याचें धवें.

दा : राख, राख. बरेभशेन राख. पूण एक लक्षांत दवर. म्हजी धूव एका उतराची आनी एका तत्वाची.

घोवयो : उजो लागलो तुजे धुवेच्या उतराक आनी तत्वाक. आनी हांवूय

कितें मेल्ले वारीचें बाबत कूळ न्हय. हांव धा गांवच्चें उदक ना पिवूं पूण म्हज्या माथ्यावयल्यान चार पावसाळे तरी गेल्यात. हांव ह्या चतुराक सोडपी न्हय. मागीर ती कितलीय आसूं चतुरा नातर फितुरा. हांवूय आसा त्या चतुराचो घोव.

दा : घोवयो!

घोवयो : घोव.

दा : घोवयो!

घोवयो : घोवयो जाल्यार घोवयो. जांवयाची खबर घेवन जाली न्हय, आतां वच.

दा : (हात मुखार करून) वतां.

घोवयो : हें कितें? वचपाचें आसता तेन्ना पांय मुखार वडयता. हात न्हय.

दा : हात जड जातकच मागीर पांय ल्हव जातात आनी आपशींच मुखार पडटात.

घोवयो : आतां आनीक हातार वडोवपासारखें कांय उरूंक ना. सगळो हिशोब त्याच दिसा सोंपला.

दा : हिशोब सोपूं. नातें खंय सोपलां?

घोवयो : आदींच म्हज्या काळजाक उजो पेटला तातूंत तूं आनी एक.

दा : तो उजो उणो जावपाचे एकूच उपाय म्हणजे –

घोवयो : तुवें हांगाच्यान वचप.

दा : (हात मुखार करून) चल्लों. हो म्हजो पिवपाचो वेळ.

घोवयो : पियेला तो निवळूंक ना, आनी आनीक पियेता?

दा : म्हाका निवळपाकूय पिवचें पडटा.

घोवयो : (नाईलाजन) जोळू आनी तूं सारखो. (ताच्या हातार कांय पैशे दवरता.)

दा : हांव परत येवपी तुजे खबरेक. तसो तुकां एकलो वडोवपी न्हय.

घोवयो : वच, वच.

(बेबदो दा वता.)

दा : एक एक पनवती. धुवेक विकती घेतली आनी मांव गळ्याक पडलो. (याद करून) हँऽऽ हाची धूव खंय एक उतराची आनी एका तत्वाची. हांव मीठ घालतां. धुवेची आनी बापायची हिवूय एक मांडणी आसूं येता. म्हणजे म्हाका असो बापायच्या तोंडाक लावप आनी तिगेल्या यारान मागीलदाराच्यान अचळय भितर रीगप. पाडा पडूं! ह्या कोळ्या हुंदरांनी म्हजें घर पोखरलां तें पोखरलां म्हजें मनय पोखरलां. कितेंय आसूं. हांवूय पिसो ना. हांवें शेण खावूं ना. हांवेंय अन्नूच गिळ्ळां. म्हाकाय खबर आसात कोळ्या हुंदरांचीं बिळां.

(दांडो घेवन ल्हवपीक पावलांनी मागीलदारावटेन वता. कांय वेळान मुखावयल्या दारांतल्यान चतुरा आनी मदन रंगा भायर येतात. मदनाच्या गळ्यांत एक मफलर कसो कपडो. मदन विडी ओडटा. ताचो धुंवर सोडटा. माचयेर सगळ्याक धुंवोर जाता. म्हणल्यार मुद्दम तयार केल्लो धुंवोर. दोगांय उमेदीन गायतात.)

तो : **फूऽऽ फूऽऽ हो प्रेमधुंवर**
मदनकुंवर हांव मदनकुंवर।।

ती : **फूऽऽ फूऽऽ हो प्रेमधुंवर**
भाळो शीव हांव तुजी गवर।।

ती : **खोशयेन भल्ली, सूप आनी वल्ली**
चम् चम् चमेली, आंगभर फुल्ली
गंधाचो रे साद तुकां
घे घुंवड्ळ्यो जावन भोंवर।।

तो : **उपाट तळयो, घस् घस् खळयो**
झाडांर ताळयो, माळयेर माळयो
रंगाचो गो साद तुकां
कुरकूट काळजांत म्हाका दवर।।

(गायतां गायतां चतुरा मदनाच्या गळ्यांतल्या मफलराक दोनूय हातांनी धरता. इतल्यान घोवयो दारांतल्यान भायर येता. मदनाची ताका फाट आसा. चतुरा मुखावयल्यान घोवाक पळयता आनी रोकडीच आपणाली मुद्रा बदलता. मदनाच्या गळ्यांत घातिल्ल्या मफलरान दोनय हातांनी ताची गची आंवुळटा. मदनाक कांयच कळना. चतुरा ताका दोळ्यांनी शिटकावपाचो यत्न करता. मदनाचें तोंड घोवयाक दिसचेंना हाची चतुरा काळजी घेता.)

चतुरा : (आडेच्या रागान) खरें कितें तें सांग. ना जाल्यार तुजी गची आंवळून जीव काडटां. तूं हांगां कित्याक आयिल्लो? तुकां हांगा कोणें धाडला? आनी कित्याक धाडला?

मदन : चतुरा, चतुरा अशें अकस्मात तुकां कितें जालें? काय बरी आमी हांसतालीं, खेळटालीं. हांव हांगासर कित्याक आयिल्लों म्हणून कितें विचारता? तुजेचखातीर आयिल्लों न्हय? म्हाका कोणें कित्याक धाडपाक जाय? तुवेंच न्हय म्हाका आपयिल्लो? आनी कित्याक आपयिल्लो तें आनी वेगळ्या उतरांनी सांगपाक जाय?

चतुरा : (दोळ्यांनी कुरवो करून) सगळें फट. एक नंबरचो बास्कळ तूं. लबाड. सांग, खरें सांगता काय आंवळूं गळो. आनी– आनी–

मदन : (लक्षांत येवन) सांगतां, सांगतां. खरें तें सांगतां.

चतुरा : सांग, बेगीन सांग. म्हजो घोव भायर येवचेआदीं सांग, नाजाल्यार तो तुकां काबार करतलो.

मदन : ना, ना. तो म्हाका काबार करचेआदीं सांगतां. पूण कितें सांगूं?

चतुरा : सांग, तूं हांगासर कित्याक आयिल्लो?

मदन : तुका मेळपाक येवंक नाशिल्लों.

चतुरा : म्हाका मेळपाक येतलो भंगलो. तूं हांगा म्हज्या घोवाक चाळोवपाक आयिल्लो काय ना?

मदन : चाळोवपाक? कितें म्हणून चाळोवपाक?

चतुरा : घोवयो घोवयो म्हणून चाळोवपाक.

मदन : ना. ना.

चतुरा : (कुरवो करून मफलर आंवुळटा.) वयल्यान ना, ना म्हण बासता?

मदन : हय, हय. तुगेल्या घोवाक घोवयो, घोवयो म्हणून चाळोवपाक आयिल्लों.

चतुरा : तुकां कोणें धाडिल्लो?

मदन : आनीक कोणे धाडटलो? तुवेंच धाडिल्लो.

चतुरा : हांवेंच धाडिल्लो? म्हज्या घोवाक चाळोवपाक तुकां हावेंच धाडिल्लो? फटींग खंयचेकडलो.

मदन : ना, ना. तुवें न्हय. तुगेल्या दुस्मानांनी.

चतुरा : म्हगेले दुस्मान गेले उडत.

मदन : तुगेल्या न्हय, तुगेल्या घोवयाल्या – न्हय तुगेल्या घोवाल्या दुस्मानांनी म्हाका धाडिल्लो. (आतां ताका परिस्थितिची जाणीव जाल्या.) आनी जाणां, ताणी म्हाका दुडूय फारीक केल्ले. हे अशे मेजून धा रुपया दिल्ले आनी धा फावटीं चाळय म्हणून सांगिल्लें. तेप्रमाण हांवें तुगेल्या घोवयाक–घोवाक (बोटां मेजत – धा फावटीं) घोवयो... घोवयो म्हण चाळयलें. घे हे धा रुपया तुकां घे आनी म्हाका सोड.

चतुरा : म्हज्या घोवाक चाळोवपाखातीर दिल्ले दुडू हांवूच घेंव? म्हाका म्हज्या घोवाचें कितें पडलां काय ना? धा रुपया न्हय, म्हज्या

फुड्यांत लाख रुपया ओतले तरी हांव म्हज्या घोवाक अशें विकपी न्हय. समजलो?

मदन : नाका विकूंक, पूण म्हाका सोड.

चमेली : हे खेप तुकां सोडटां. पूण दुसरे खेप ना. सोडपी न्हय. चल, म्हज्या घोवाचे नदरेक पडचे आदीं हुंवाळून वच हांगासल्लो. वच म्हणटां न्हय.

मदन : वतां. पूण गळ्याचें सोड न्हय.

(चतुरा गळ्याचें सोडटा. तेसरशीं मदन पळून वता. येदो वेळ दारांत रावून घोवयो घडिल्ले गजालीचो अदमास घेता.)

घोवयो : चतुरा, अशी कितल्या जाणांची गची आंवुळटली तूं?

चतुरा : (खबर नाशिल्ले भशेन करून) तूं? तूं केन्ना आयलो?

घोवयो : व्हदळ.

चतुरा : म्हणजे तुवें आयकलें सगळें?

घोवयो : आयकलें आनी पळयलें सुद्धां.

चतुरा : पळयलें? कितें पळयलें?

घोवयो : हेंच. तूं ताची गची आंवुळटाली.

चतुरा : खरेंच?

घोवयो : खरेंच म्हणजे? फट तर तें?

चतुरा : तशें न्हय. तुवें पळयलें?

घोवयो : पळोवपाखातीर करूंक नाशिल्लें तर तुवें तें?

चतुरा : (गोंदळटा) आं, ना, ना. हय, हय.

घोवयो : चतुरा म्हाका तुजो कितलो अभिमान! म्हजेखातीर तूं कोणां परकी दादल्याच्या जीवार उठली.

चतुरा : हय तर. हांव कोणांक सोडपी न्हय.

घोवयो : तें दिसलें म्हाका. कितलो वेळ तुवें ताका कसोच सोडलो ना.

(हांगाथंय पडिल्लीं विडयेचीं पोंतेरां पुजायत) हो कोण तो?

चतुरा : (तोंडार मदन नांव येता) म.. द.. न.. ना.. मदांध! मदांध!

घोवयो : तर हो कोण मदांध पळय म्हाका चाळोवपाक आयिल्लो-

चतुरा : ताका तुज्या दुस्मानांनी धाडिल्लो.

घोवयो : बरोबर. तो मदांध म्हाका चाळयताना विडयोय ओडटालो? (दाखयत) पळय, ह्यो ताणें ओडिल्ल्यो विडयो. हीं दारामेरेन आशिल्लीं.

चतुरा : (याद जावन) पाडा पडूं ताचें! ताका सांगिल्लें - (सांवरून) धनया, हीं त्या मदांधान ओडलेल्या विडयांचीं पोंतेरां न्हय.

घोवयो : मागीर कोणें हांवें ओडलेल्या विडयांचीं पोतेंरां?

चतुरा : तूं विडयो ओडटालो जाल्यार ही पाळी म्हजेर येवपाची न्हय.

घोवयो : कसली पाळी आयल्या तुजेर?

चतुरा : विडयांची पोंतेरां जमोवपाची पाळी.

घोवयो : तीं पोंतेरां कित्याक?

चतुरा : म्हाका तांचो वास खूब आवडटा. सूरबूस वास!

घोवयो : शी!

चतुरा : शी कित्याक? दर एकल्याची एक एक आवड.

घोवयो : पूण परक्यान ओडलेल्या विडयांचो वास घेवप म्हणजे -

चतुरा : मागीर तूं ओड न्हय. हांव मागीर तुवें ओडिल्ल्यो विडयो पुंजयतां.

घोवयो : तेपरस तूंच कित्याक ओडिना?

चतुरा : शीस्स! म्हाका आवडना. म्हाका दुसऱ्यान ओडलेल्या विडयांचोच वास आवडटा. देखून हांव तीं वाटे-तिटेचीं पुंजायतां.

घोवयो : फायच्यान तीं पुंजावप बंद कर.

चतुरा : आनी वास कित्याचो घेवं?

घोवयो : म्हज्या तोंडाचो घे.

चतुरा : (विटून) शीस्स! (कळून) म्हणजे तूं विडयो ओडपाक सुरवात करता?

घोवयो : आतां बायलेक जाय जाल्यार करचें पडले ना?

चतुरा : तूं कितलो बरो! आनी शाणो लेगीत! वगीच लोक तुकां घोवयो म्हणून चाळयतात.

घोवयो : फुकट कोण चाळयना.

चतुरा : म्हणजे?

घोवयो : पयशे घेवन चाळयतात.

(दोगांय हांसतात. तो वळटा.)

चतुरा : (उमेदीन) खंय वता?

घोवयो : खूब उमेदीन विचारता. अशी एक पासय मारुन येतां.

चतुरा : तूं पासयेक वता म्हणल्यार म्हाका उमेद जाता. पासय तुजे भलायकेक खूब बरी. अशी लांऽऽ ब पासय मारून यो. मागीर तुका सुस्त बरी न्हीद पडटली. हांव तुका जेवण रांदून दवरतां.

घोवयो : जेवपाचें बरें आसा. हांव जेवतलोंच म्हणपाचें सांगूं नजो. आयज तुज्या करण्यांनीच म्हजें पोट भरलां.

चतुरा : म्हज्या करण्यांनी?

घोवयो : हय. घोवाक चाळयता म्हण तुवें एका परक्या दादल्याच्या आंगार हात घातलो ना? म्हाका केदो अभिमान! पोट भरलें म्हजें.

चतुरा : म्हाकाय बरें दिसलें, तुजीं उतरां आयकून. आतां पासयेक वता न्हय? मागीर काळोख जातलो.

घोवयो : वतां, वतां.

(वचपाक वळटा. तेसरशीं चतुरा हेवटेन तेवटेन पळयता, अर्थात मदनाक. घोवयो परत येता. चमेली कांचवेता.)

घोवयो : हांवूच तो. कितें सांगतालों जाणां? म्हजे अस्वडीं कोणूय आयलो जाल्यार–

चतुरा : कोण येवपाचो ना.

घोवयो : समज कोणूय आयलो आनी म्हाका घोवयो घोवयो म्हण

चोळोवपाक लागलो जाल्यार ताची गची आंवळप ना. गची आंवुळ्यार मनीस मरपाक शकता. एकदां मेल्यार तो परत मेळपाक ना देखून. समजलें न्हय? गची आंवळप ना.

चतुरा : समजलें. समजलें. गची आंवळप ना.

(घोवयो वता. चमेली तो गेल्ल्याची बेस बरी खात्री करून घेता आनी मागीर मदनाक उलो मारता.)

चतुरा : मदनऽऽ मदनऽऽ

(मदन धांवत उडयो मारीत येता. ताका हुमल्यांनी खाल्ला.)

मदन : आवय! आवय! खाल्लो, म्हाका खाल्लो.

चतुरा : आरे कोणें खाल्लो?

मदन : तुज्या घोवान खाल्यार जातालें, ताचेपरस चड म्हाका हुमल्यांनी खाल्लो.

चतुरा : थंय झिलींनी कित्याक गेलो तूं?

मदन : हुंदराक बिळाचो आनी चोराक झिलीचो आदार न्हय, लिपपाखातीर?

चतुरा : बरोबर.

मदन : चतुरा, पूण तुजेखातीर हांव कितेंय सोंसपी.

चतुरा : तें दिसताच न्हय.

मदन : चतुरा, कितले हुमले चाबले जाणां? एक आनी दोन न्हय. मेजून एकशेंपांच. कौरव आनी पांडव आशिल्ले तितले हुमले एक एक करुन चाबले म्हाका.

चतुरा : आरे, पूण तांकां एक एक करून मेजपाक कित्याक बसलो? एक एकल्याक फाफडून वडोवपाचो न्हय?

मदन : फाफुडल्यार झिली हालत म्हूण तसोच सोंशीत रावलों. जांव. एका निमतान हुमले मेजून जालें. एकशेंपांच!

चतुरा : आनी एक महाभारत टळ्ळें.

मदन : खंय धाडला तुवें घोवयाक?

चतुरा : पासयेक.

मदन : पासयेक कित्याक? ताका लांब भोंवडेक धाडपाचो.

चतुरा : थार धर. तेवूय दीस येतले.

मदन : म्हाका फक्त दीस उपकारा पडना. रातीय जाय.

चतुरा : त्योवूय मेळटल्यो.

मदन : (उमेदीन) खरेंच? पळय, हुमल्यांचे जाळ कितले उणे जाले!

चतुरा : चल भितर. हांव तुज्या आंगाक तेल लायतां. जाळ उणें जातले.

मदन : खरेंच? जाळ आनीकूय उणे जाले.

चतुरा : चल. सगळे उणें जावचेआदीं भितर चल.

(ताका धुकलीत भितर व्हरता. कांय वेळान भायर सावन घोवयो येता. हातांत विडी आसा. ती ओडटा, पूण नवो आशिल्ल्यान त्रास जाता. खांक येता.)

घोवयो : (आपले भितर) आतां पळोवया, तोंडाचो वास घेता काय पोंतेरांचो घेता तें. केन्ना ओडूंना म्हणटकूच त्रास जाता खरो. तें एक वेसन नाशिल्लें. आतां बायलेखातीर करून घेवचें पडलें. फाल्यां सोऱ्याचो वास घेन दिसता म्हणना जाल्यार पुरो. तशें तिगेलें सगळें आयकुपी. पूणँ तिका अशी मेकळी सोडपी न्हय. (याद करीत) कसली एक एक मांडणी काडटा! पासय खंय म्हजे भलायकेक खूब बरी. कितलें पडलां तर हिका म्हज्या जिवाचें! (तिच्याच उतरांनी) "अशी लांऽऽ ब पासय मारून यो. मागीर तुका सुस्त बरी न्हीद पडटली." वा! लांऽऽ ब पासय. म्हणजे घरापासून पयस. आनी म्हाका रातची सुस्त बरी न्हीद पडूं म्हणजे मागीर हिका धुमशेणां कांडपाक सगळी रात मेकळी. पूण हांवूय हिच्या कपलार मिरयां वांटपी. न्हिदेचो उपाय हांव आतांच करून आयलां. (वालको पोंवटेवयर काडून घाय दाखयता.) पोंवट सुरयेन चिरल्या आनी तातूंत मिरसांगे पिठो भरला. आवयस! कसले जाळ पडल्या. असल्या जाळांनी न्हीद पडपाक आयल्या? रातभर जागो उरपाक हो उपाय केला.

आमगेले जाणटेले रातभर जागो उरपाक असलोच उपाय करताले. हिका रातभर राखपाची म्हणजे असलोच उपाय करचो पडलो ना? नाजाल्यार म्हणटली, ‘‘तूं रातचो सुस्त न्हिंदिल्लो, घोरेतालो. तेन्ना तो कोण मदांध आयलो आनी तुकां घोवयो घोवयो म्हण चाळोवपाक लागलो. सोसूं नजो जावन आपणें ताच्या आंगार हात घातलो.’’ मोटी लबाड बायल! हांव म्हणून हिचेबराबर दीस काडटां! म्हजेबगर आनी कोणूय जाल्यार ही बायल ताचीं लाकडां येन्ना मसणांत पावयतली आसली. आतां हांव लांऽऽब पासय ल्हाऽऽन करून आयलां खरो पूण तितल्याच वेळांत हांगा-थंय दडून बशिल्लो एखाद्रो तर्पाशेर भितर अचळय रीगला आसूं येता. ज्युस्त शिकारेच्या वेळार सुणें मुतूंक गेलें अशी गत जावं येता. (भितर आवाज जाता. सुलूस घेता.) भितर खडाखूड आवाज जाता. सेर्त कोणतरी! आतां मात हे बायलेक रंगेहात पकडटां. पळोवया मागीर कसली मखलाशी करता ती.

(चोर पावलांनी भितर वता. कांय वेळान चतुरा ‘कोळेहुंदीर, कोळेहुंदीर’ करून आरड मारता. तेसरशीं आंगार कांबळ पांगुरिल्लो कोणतरी (मदन) मागील दारांतल्यान भायर येता. कोळेहुंदरा भशेन आंगणांत हांगाथंय नाचता. ताचेफाटोफाट घोवयो दांडो घेवन धांवता, पूण ताका तो कसोच मारपाक मेळना. घोवयो दांडो हवेंत वावडीता. भितरसावन, मुखावयल्या दारांतल्यान दोनूय हात वावडीत हुयेली मारीत चतुरा भायर येता. घोवयाचें लक्ष तिचेवटेन वता. इतल्यान कोळो हुंदीर पळून वता.)

घोवयो : तुकां बोबो हुयेली मारपाक कितें जालें? कोळोहुंदीर तुकां चाबलो?

चतुरा : पाड पडूं ताचें. चाबल्यार उपकारतालो. पूण ताणें म्हजी वाट लायली.

घोवयो : कसली वाट लायली?

चतुरा : म्हजे हात पळयात न्हय. सामके नागडे.

घोवयो : नागडे न्हय, उकते.

चतुरा : कांकणां फुटलीं. दोनय हातांचीं.

घोवयो : कांकणां फुटलीं कितें! फुट्टलीं दुस्मानाचे बायलेचीं. कांकणां वाडवलीं.

चतुरा : हय वाडवलीं. काय बरीं कांकणां आशिल्लीं. एकान एक वाडवलें.

घोवयो : जांव वाडोवं. हांव आसा न्हय. हांव हाडटलों दुसरीं. आशिल्लीं ताचेपरस बरीं.

चतुरा : पूण आतां हांव उक्त्या हातांनी रावूं? लग्न जाल्ली बायलमनीस हांव.

घोवयो : (आपलेभितर) जांव! तितलें तरी भान आसा तुकां! (उक्तेपणीं) फाल्यां तुज्या कांकणांची वेवस्था करतां. लग्नांक घातिल्लीं तशीं हातभर कांकणां घालतां तुकां.

चतुरा : धनयां, तूं कितलो बरो! पाड पडूं त्या कोळे हुंदराचें. म्हजो आवरोच उडलो. माल्लो काय पळून गेलो?

घोवयो : येद्या व्हडल्या कोळे हुंदराक मारूं येता? पळून गेलो.

चतुरा : बरें केलें.

घोवयो : कितें?

चतुरा : पळून गेलो तें जालें. पूण एक दांडो तरी कमरार घालपाक मेळ्ळो काय ना?

घोवयो : कोळे हुंदराक कमर आसता?

चतुरा : कमरार म्हणजे फाटीर.

घोवयो : ना. तो खूब चपळ आनी शीटूक आशिल्लो. ताणें कमरार-फाटीर एक्कूय दांडो घेतलो ना. सगळे दांडे हवेंतूच गेले.

चतुरा : बरें जालें!

घोवयो : कितें बरें जालें? हांव बेस्टो ताचे फाटीक लागूंक नासलों.

चतुरा : म्हणजे?

घोवयो : म्हणजे कितें? त्या कोळेहुंदराचे फाटीर म्हजी कांबळ आशिल्ली.

चतुरा : आंवय! कांबळ आनी कोळेहुंदराचे फाटीर? तुकां पिशें लागलां काय कितें?

घोवयो : आजून लागूंना.

चतुरा : तो खरेंच कोळोहुंदीर. हांवें म्हज्या दोळ्यांनी पळयलां न्हय. नाजाल्यार हांव वगीच आरड मारतली आसलीं? तुमकां कितेंतरी भास जाला

घोवयो : भास जाला? बरें आसा.

चतुरा : तुकां पिवपाक कितें हाडूं?

घोवयो : नाका.

चतुरा : खावपाक कितेंय हाडूं?

घोवयो : नाका. व्हदळ पोट भरलेलें तशेंच आसा.

चतुरा : मागीर आनीक कितें हाडूं?

घोवयो : कांबळ.

चतुरा : कांबळ?

घोवयो : हय, कांबळ. आयज हांव हांगा आंगणांतूच न्हिदतलों.... म्हजी भितरली कांबळ घेवन यो.

चतुरा : (चांचरत) कांबळ?

घोवयो : हय. कांबळ. चल बेगन हाड. म्हाका शीं खाता.
(चतुरा थरथरत भितर वता.)

घोवयो : कांबळ हाडपाक भितर गेल्या. खंयची कांबळ हाडटली? बापायली? एक आशिल्ली ती कोळोहुंदीर पांगरुन घेवन गेलो. सादो न्हय दोन पांयांचो कोळोहुंदीर. तो कोण मदांध! हो कोण कोळोहुंदीर! एकल्या एकल्याक मेजून दवरतां. कांबळ हाडपाक गेल्या. पळोवया खंयची कांबळ हाडटा ती! (उलो मारून) चतुरा, चतुरा म्हाका हांगा कसलो कुडकुडो खाता.

म्हजी कांबळ घेवन यो न्हय.

चतुरा : (भितरसावन) धनयां, कांबळी वाट्याची चादर हाडूं?

घोवयो : नाका. कांबळ म्हणजे कांबळ.

चतुरा : (रडत भायर येत) धनयां, कांबळ घरांत ना.

घोवयो : मागीर खंय आसा?

चतुरा : काल ती हांवें कोणांक दिली.

घोवयो : दिली? कोणांक दिली?

चतुरा : अशीच एकट्या जाणटेल्याक.

घोवयो : कोण जाणटेलो?

चतुरा : तूं घडये वळखुचोना ताका. गांवच्या पोंताक ताचें घर. आबो ताचें नांव. कंबरान बागवला तो.

घोवयो : तो जाणटेलोय हांगा येता?

चतुरा : तो काल हेवटेंतल्यान वतालो.

घोवयो : जाल्यार तुवें ताका कांबळ काडून दिली?

चतुरा : ना. तो शिंयान सामको कुडकुडटालो.

घोवयो : (आपले भितर) आसा फटें खाता शी! (तिका) काल खंयचें शीं?

चतुरा : आयज तशें काल. आयज तूं कसो कुडकुडटा तसो तो काल कुडकुडटालो. आबो.

घोवयो : आबो! ह्या असल्या शिंयान तो वांचतसो दिसना.

चतुरा : वांचतलो. वांचतलो. ताचेकडेन कांबळ आसा. फाल्यां घेवन येतलो तो. नाजाल्यार हांव वचून घेवन येतां.

घोवयो : वचून घेवन येवपाची कांय गरज ना. हाडली जाल्यार बरी आसा, नाजाल्यार वचूं कांबळ. हरशीं म्हण गेल्लीच ती. कोळे हुंदरान फाटीर गुठलावन व्हेली असो म्हाका भास जाल्लोच.

चतुरा : भासूच तो. तुकां खावपा-पिवपाक कांय नाका न्हय?

घोवयो : नाका. चल, न्हीद तूं.

चतुरा : दीसभर खूब काम केलां. हाथरुणार पडनाफुडें न्हीद

लागतली.

(भितर वता.)

घोवयो : (मुखार) हाथरुणार पडनाफुडें न्हीद लागपाक कसलें काम केलां हिणें? कोणाचो गळो आंवुळ्ळा, कोळेहुंदराक पोसला हें काम? आनी कसली कवनी बायल! एकेवटेन कोळेहुदरांक धांवडायता आनी दुसरेवटेन कांकणां फुटलीं म्हण करन्नाय मारता! म्हणजे म्हजें लक्ष हिचेर वचचें आनी कोळेहुंदराक असुदाय पळपाक मेळचें. आनी कांकणां वाडयल्यांत ताचेफाटल्यान कितेंय मांडणी आसूं येता. आमगेले जाणटेले बायलांच्या हाताक मनगटभर कंवचेर्ची कांकणां घालताले. फक्त हातांचे सोबेक न्हय. बायल खंय आसा? काम करता काय न्हिंदल्या? हें कळपाखातीर. आतां हिणें कांकणांच वाडयलीं. आतां ही खंय कितें करता हाची सुलूस कशी लागपाची? पूण हांव हिका अशी सदळ सोडपी न्हय. हिका खबर ना. वास्वेलाचें नाक दरवेशाच्या हातांत. आतां कोण हिका मेळपाक येवपाचो आसा तें पळयतां. फुडल्या दारांतल्यांन येवं नातर फाटल्या दारांतल्यान येवं. कोण भितर सरलो रे सरलो, फुडलीं – फाटलीं दोनूय दारां बंद करतां आनी मागीर सगळ्या गांवाक आपयतां. (विचार करून) नाकां. गांवाक आपोवप म्हणजे आपलीच लज आपणेंच वाऱ्यार घालप. तेपरस तोच उपाय बरो. निद्रादेवीमुखार हिका प्रमाणांक व्हरप. एकदांचो सोक्षमोक्ष. दूदका दूद आनी पानी का पानी. ते खातीर हिका पुराव्यासयत सांपडावप होच उपाय योग्य. हिचे जागेपणी बी न्हय, हिच्या सपनांत लेगीत कोणूय आयल्यार हांव हिका सोडपी न्हय. पोंवटेक जाळ पडल्यात ते कांयच न्हय. ताचेपरस काळजाक कसले जाळ पडल्यात! (विडी पेटयता आनी दांडो घेवन हांगा-थंय पासयो मारता. ल्हवू-ल्हवू काळोख जाता. फक्त विडी पेटटा तितलोच उजवाड दिसता.)

देखाव – तिसरो

(कांयवेळान ल्हवू-ल्हवू उजवाडटा. सकाळ जाता. कोंबो साद घालता. सवणीं रडटात. वांठाराक जाग येता. घोवयालें घर स्पश्ट दिसता. घोवयो एकीकडेन बशिल्लो आसा. मुखावयल्या दारांतल्यान चतुरा भायर सरता. तिणें बरो नट्टापट्टा केला. पोरसांतल्या झाडाचें फूल खुंटून माथ्यांत खोयता. ती उमेदींत आसा. कसलेंतरी गीत गुणगुणटा. घोवयो तिका चत्रायेन पळयता.)

घोवयो : (मुखार) बायल म्हणल्यार घराची लक्ष्मी. सकाळीं उठून घरदार झाडपाचें, शेण-सारवण करपाचें. पूण तें ना. आपूण सगळ्यान पयलीं भायर सरल्या. रातभर हांवें हांगासर राखण केल्या न्हय. जितो मूय मूस घराभोंवतणी येवपाक दिवंक ना. आतां घरांत कोणांक येवपाक मेळना म्हणटकूच यारांक सोदपाक भायर वचचें पडलें ना? तीच सकाळफुडें तयारी. आतां कसलें निमित्त सांगता पळोवया. (चतुरा घोवयाच्या लागीं येता.)

चतुरा : धनयां, रातभर कसली ही राखण? म्हजेर इतलोय विश्वास ना? तूं हांगां भायर म्हणल्यार भितर म्हाका मात लेगीत पातकडी लागली ना. आनी रातभर म्हजे हात उकते. आयाव बायलमनीस हांव. अशा उक्त्या हातांनी रावप म्हणल्यार म्हज्या सौभाग्याक नखलामी. म्हणून सकाळफुडें उठलें. अशें सांतेक वतां आनी हातांत कांकणां भरून घेतां, आनी येतना

आबोगेर वचून तुजी कांबळ घेवन येतां. कालचे सारखी आयजूय जर तुकां राखण करपाची आसत जाल्यार कांबळीविणें कुडकुडपाक नाका. कांकणांखातीर पयशे दिना जाल्यार जाता. ती कांकणाकान्न उदार रावतली म्हाका.

घोवयो : (हात मुखार करून, हातांत विडयेंची पोंतेरां आसात.) घे.

चतुरा : नाका म्हणलें न्हय. उदारी करतां.

घोवयो : घे.

चतुरा : बरें. घेच म्हणटा जाल्यार घेतां. (घेता.) आंवय! हें कितें? सकाळीं सकाळीं हें कितें म्हज्या हातांत दिलां?

घोवयो : तुकां दीसभर हांगचीं-थंयचीं, हाच्या-ताच्या उशट्याचीं पोंतेरां पुंजावपाचे कश्ट नाकात. हीं रातभर ओडिल्ल्या विडयांची पोंतेरां. दीसभर वास घेयत बस.

चतुरा : (एकेवटेन विट्टा, पूण-) हयच जाल्यार. आयज म्हजो दीस बरो परमळीत वतलो. (ल्हवूच कडेक वचून पोंतेरां वडयता.)

घोवयो : तो आख्खो दीस असो हांगाच सार.

चतुरा : म्हणजे?

घोवयो : म्हणजे भायर वचप ना.

चतुरा : आनी ती कांबळ?

घोवयो : तिची आशा हांवें सोडल्या.

चतुरा : पूण तुकां सांजेक?

घोवयो : कांबळीविणें रात सारपाक म्हाका कळटा.

चतुरा : आनी म्हजीं कांकणां?

घोवयो : मागीर पळोवया.

चतुरा : पूण म्हजे हात उकते.

घोवयो : आसूं दी.

चतुरा : म्हज्या सौभाग्याक नखलामी.

घोवयो : हांव मरना जातकूच जालें ना? केन्नाय दारांत कांकणकार येता

तेन्ना घे घालून.

चतुरा : तो पाडपडिल्लो केन्ना येता तेन्ना येता. ताचो कितें भरवंसो? (पयसुल्ल्यान आवाज आयकूंक येता. कांकणकारऽऽ कांकणकारऽऽ. तेसरशीं दोगांय एकामेकाकडेन दुबावान पळयतात.)

घोवयो : ज्यूस्त नांव काडपाक कांकणकार कसो हजर जालो?

चतुरा : हांवूय तेंच विचारतां.

घोवयो : म्हाका तुजो दुबाव येता.

चतुरा : कसलो दुबाव?

घोवयो : तूं कालसावन कांकणां कांकणां करीत आशिल्ली. तुवेंच ताका सांगून धाडलां आसतलें, आयज यो म्हणून.

चतुरा : केन्ना सांगून धाडटलें? रातभर तूं हांगासर बंदखणीचो राखणदार कसो पारो करीत आसा. आनी कांकणकाराक सांगून धाडलां जाल्यार हांव सकाळीं सांतेक वचपाक कित्याक भायर सरतली आसलीं? आनी हांव कांकणकारागेर वचनाशिल्लें, कांकणकान्नीगार वतालें.

घोवयो : तुजेंय बरोबर.

चतुरा : हे खातीर लोक तुका घोवयो म्हणटात. पूण तूं तसो घोवयो ना. म्हाका तुजो दुबाव येता.

घोवयो : म्हजो कसलो दुबाव?

चतुरा : तुवें कांकणकाराक आपोवन हाडला. हांव भायर वचपाक नाका म्हणून.

घोवयो : त्या कांकणकाराचें तोंड हावें आजून पळोवंक ना. रातभर हांव हांगां आसा.

चतुरा : मागीर त्या कांकणकाराक कितें सपन पडलें, म्हजी कांकणां वाडवल्यांत म्हणून.

घोवयो : जांव. जालें तें जालें. अनायामान कांकणकार दारांत पावलो. आतां जाय तितलीं भर हातांत कांकणां. मनगटामेरेन न्हय,

भुजामेरेन चडय.

(भायरसावन कांकणकार येता. कांकणकार म्हणल्यार मदनान जाणटेल्या कांकणकाराचो भेस केला. खांदाक कांकणांच्यो माळो लांबयल्यात. ताणें आपूण कुड्डो आशिल्ल्याचें संवंग केलां. तो गायत येता.)

कांकणकार कुड्डो गो, कांकणकार कुड्डो
साद मारून आपय म्हाका न्हय गो हांव भेड्डो॥

वयर–खाला, हांगा–थींगा पालथो घालतां गांव
एके एके अस्तुरेचें खबर आसा नांव
कितलीं सोबीत, तरेकरंगी कांकणां हाडटां हांव
बायलां म्हजी वाट राखता, मारुन येतां धांव॥

फुडल्या घरा, कालच्या पारा घडलां कितें खास
पयस सावन कोसावेल्यान आयला म्हाका वास
देखून धांवोन घेवन येयलां कांकणांची रास
उक्ते हात सोबीत करप हीच म्हजी आस॥

मदन : नमस्कार. हांव कांकणकार. कुड्डो आसलों तरी म्हजो अदमास शंबर टक्के सारखो आसता. मातसो केन्नाय फाटीफुडें जाता. कुड्डो न्हय? पूण हांव वासावयल्यान मनशाक वळखतां. वासावयल्यान मनशाचो आनी वस्तुचो रंग सांगतां. जमल्यार सभावूय सांगतां. केन्नाय मातशें फाटीफुडें जाता. कुड्डो न्हय? तर तुमी हांगा दोग जाणां आसात. (वास घेवन) तातूंत एक बायलमनीस आनी एक दादलोमनीस! बरोबर रावात. उलोंव नाकात. दादलोमनीस कोण आनी बायलमनीस कोण तेंवूय सांगतां. (घोवया म्हऱ्यात वचून) ही बायलमनीस! (चतुरा म्हऱ्यांत वचून तिका हात लायत) आनी हो दादलो मनीस!

(चमेली कुशीक सरता.) ना. ना. मातशें फाटीफुडें जालें. कुड्डो न्हय? पूण वासावयल्यान तुमचें दोगांयचें नातें सांगतां. (वास घेता.) मांव आनी सुनेचें? धूव आनी बापायचें? ना शें दिसता.घोव आनी बायलेचें आसूंक जाय असो म्हाका दुबाव येता खरो, पूण तसो वास येना. आयच्या दिसापुरतो तरी तसो वास येना. आरे पूण हांवूच उलयत आसां. तुमी दोगांय उलयना. देवा म्हज्या! तुमीय बी म्हजेभाशेनूच काय? हांव कुड्डो तर्शीं तुमी मोनी?

ोवयो : आमकां उलोवपाक येता.

दन : वा! कितलो गोड आवाज. तुजो दादल्याचो आवाज इतलो गोड जाल्यार तुजे म्हऱ्यांत आशिल्ले अस्तुरेचो आवाज कितलो गोड आसतलो! गोऽऽड!

ोवयो : तूं गोडाचो धंदो करता काय कांकणांचो?

दन : सांग कोणांक कांकणां घालुंया? तुकां काय–

ोवयो : म्हाका दादल्यामनशाक कांकणां घालता?

दन : घालतात. थोडे दादलेय घालतात. पूण तूं घालचो ना म्हण जाणां हांव. वासावयल्यान वळखलें हांवें.

ोवयो : कांकणां म्हजे बायलेक घालपाचीं.

दन : आं. बायलेक? म्हाका दिशिल्लेंच तशें. चल, आपय तुजे बायलेक.

ोवयो : आपय? ही तुजेमुखार आसा ती दिसना?

दन : दिसता. दिसता. म्हणजे हीच तुजी बायल? माफ कर घोवा, पयलीं तसो बायलेचो वास आयलो ना म्हाका. केन्नाय अशें फाटीफुडें जाता. कुड्डो न्हय?

ोवयो : (मुखार येवन) आयज देवी म्हजेवट्यां आसाशी दिसता. कांकणकाराक धाडलो तो धाडलो. कुड्डोय धाडलो. म्हजी चिंता उणी जाली.

दन : हो घोवयो–घोव खंय गेलो रे! कांकणां घालताना तुजी गरज

ना. पूण मागीर कांकणांचें पयशे फारीक करता तेन्ना तुजी गरज लागतली.

घोवयो : चतुरा, कुरकुटांत पयशे आसात. कांकणां घालून जातकूच फारीक करपाचे.

मदन : ही चतुरा कोण?

घोवयो : आनीक कोणे? दोळे फुटल्या?

मदन : फुटल्या म्हूण विचारतां न्हय?

घोवयो : चतुरा म्हजे बायलेचें नांव.

मदन : वा! कितलें सुंदर नांव! नांव इतलें सुंदर जाल्यार–

घोवयो : कांकणां घालपाक आयला जाल्यार तितलेंच काम करपाचें.

मदन : हय. तितलेंच करतां. यो, चतुरा अशी मुखार यो. तुजो हात म्हज्या हातांत दी.

घोवयो : कितें?

मदन : हात हातांत घेतलेबगर तिच्या हाताक कांकणां कशीं चडयतलों? (आपले भितर) कुड्डो मागता एक दोळो आनी देव दिता दोन.

घोवयो : बेगीन घाल आनी झूर हांगासरलो. गरजेभायर बडबड नाकां. कुड्डो म्हण वगी रावतां तुका. चतुरा, सांगलां तशें. कुरकुटांत पयशे आसात.

(चतुरा मानेन हयकार दिता. घोवयो भायर वता. तेसरशीं मदन आनी चतुरा खोशयेन उडयो मारतात आनी एकमेकांक ताळयो दितात.)

चतुरा : मदन, मदन कितलो हुशार रे तूं? कांकणकार जावपाची कसली मांडणी काडली तुवें? तुजी करामत पळोवन हांव थक्क जाली. उतर लेगीत फुटना जालें म्हाका.

मदन : आगो चतुरा, काल रातीं कोळेहुंदीर जावन पळटाना तुजीं कांकणां फुटलीं –

चतुरा : वाडवलीं. हांवें मुद्दाम वाडयलीं.

मदन : तुजीं कांकणां वाडवली तें पळयलें हावें. आतां म्हणलें, ही शक्कल बऱ्याक पडटली. थोड्या वेळा पुरतो कांकणकार जालों.

चतुरा : आनी सारकी मुदयेर थीक कशी मांडणी जुळून आयली. योगायोग लेगीत मनासारखे जुळून येयात न्ही? विसरचेआदीं सांगतां–

मदन : कितें?

चतुरा : कोळे हुंदीर जावन घेवन गेला ती कांबळ परत जाय. खंय वडोवना मरे?

मदन : ना. ना. सांबाळून दवरल्या. काल रातींच घेवन येवपाचों. पूण रातभर तुगेलो घोवयो हांगा पारो करीत आशिल्लो.

चतुरा : आयलोना तें बरें केलें. रातभर ताणें म्हजेखातीर जागरण केलें. आनी हांवें तुजेखातीर.

मदन : आनी हावें तरी दुसरें कितें केलें?

चतुरा : प्रेमांत अशेंच जावपाचें.

मदन : खरेंच.

चतुरा : आनी मुर्खा,

मदन : आरे, शाण्याचो रोकडो मूर्ख जालो?

चतुरा : त्यो विडयो ओडून पोंतेरां हांगाथंय वडयलीं ताचेखातीर आनीक एक नाटक करचें पडलें.

मदन : अक्कल आशिल्ल्याक भांडवल नाकां. तुका कांयच कठीण न्हय.

चतुरा : ते कांबळीचें कितें करता? ताका दुबाव आयला. ताका ती परत जाय.

मदन : कांबळीचें बरें आसा. पयलीं हीं कांकणां घेवन आयलां तीं पयलीं चडयतां.

चतुरा : चल. हांगां नाका. भितर.

मदन : (कुड्डेपणाचें संवंग करून) खंय?

चतुरा : खंय म्हणजे घरांत.

मदन : खंय आसा तुजें घर?

चतुरा : अशें कितें करता मदन?

मदन : मदन? हांव कांकणकार न्हय? कुड्डो कांकणकार!

(दोगांय हांसतात आनी भितर वतात. वांगडा कांकणांय व्हरता. भितरसावन दोगांय हांसतात – किटकिटटात. इतल्यान भायर सावन एकलो मनीस येता. तो उकतो आसा म्हणल्यार कमरापुरतें भितरलें न्हेसण आसा. हो खरो कांकणकार. तो सादयत येता.)

कांकणकार: आरे येऽऽ खंय गेलो रे तो? कितलो वेळ जालो! म्हजीं कांकणां घेवन खंय गेलो? रोखडो येतां म्हण सांगतालो मरे! कांकणां व्हेलीं तीं व्हेलीं, म्हजो भेसूय व्हेलो. रोकडो येतलो म्हण सांगलें म्हणून कांकणां दिलीं आनी भेसूय दिलो. पूण कितलो वेळ जालो! येन्ना हांव कितलें गिरायक करतलो आसलों. हाताक पांच रुपया वडयले म्हणून हांवें तुकां सगळें काडून दिवंक ना रे पापया. तूं कसल्या तरी संकश्टांत सांपडला म्हणून उदार मनान तुकां सगळें दिलें. जाल्यार तूं असलीं घातमारेपणां करता? आदेसाच्या आदेस म्हजीं कांकणां आनी मुस्तायकी घेवन नाच्च जाता! आरे येऽऽ सारको उलो मारतलों म्हणल्यार तुजें नांव सुद्धां विचारलें ना. कसली साडेसाती येवजली आनी तुजे भकीक पडलों. आरे येऽऽ खंयच्च्या फोंडांत–मस्णांत गेलो रे तूं? आरे येऽऽ आरे येऽऽ

(इतल्यान भायरसान घोवयो येता. उक्त्या कांकणकाराक पळोवन अजापता. दुबावता.)

घोवयो : तूं कांकणकार न्हय?

कांकण : आरे, तूं म्हाका कांकणकार म्हण वळखलो? हांव उक्तो आसून लेगीत वळखलो? देव पावलो.

घोवयो : तुवें कपडे केन्ना काडले?

कांकण : कपडे हावें हांगां काडूंना. थंय काडिल्ले. हांगा असोच उक्तो आयलों.

घोवयो : हांगां असो उक्त्यान कितें करता?

कांकण : आनीक कितें करतलों? वाट पळयतां.

घोवयो : वाट पळयता? कोणाची?

कांकण : आनीक कोणाची? नशिबाची वाट पळयतां.

घोवयो : नशीबाची?

कांकण : नशीबाची म्हणल्यार म्हज्या कपड्यांची आनी म्हज्या कांकणांची. तो घेवन गेला न्हय?

घोवयो : कोण?

कांकण : नांव खबर ना. थोड्या वेळा खातीर ताका कांकणां आनी मुस्तायकी दिली. पांच रुपया हातार वडयले म्हण न्हय, तर तो कसल्यातरी संकश्टांत आशिल्लो म्हणून. पूण ताणें म्हाका असो आदेसभर दिगंबर करून दवरलो.

घोवयो : (समजून) आतां तो कुड्डो खंय आसा?

कांकण : कोण कुड्डो? तो कुड्डो-बिड्डो कांय ना. ज्युस्त मेजून म्हज्या हातार पांच सुब्रे दवरल्या. चार न्हय आनी सवूय न्हय. बरें लख्ख दिसता ताका.

घोवयो : आतां तो खंय आसा?

कांकण : तो खंयूय मस्णांत आसूं. म्हर्जी कांकणां आनी मुस्तायकी सुगूर उरल्यार पुरो.

घोवयो : तुकां तुज्या कांकणांचें आनी मुस्तायकेचें पडलां. (उलो मारीत) चतुराऽऽ चतुराऽऽ तो कांकणकार फटकिरो.

(दांडो घेवन धांवत घरांत वता. हेवटेन कांकणकार बोबो मारता.)

कांकण : म्हर्जीं कांकणां! म्हजी मुस्तायकी!

(मागीलदाराच्यान कांकणकाराचो भेस घाल्लो मदन भेंडार हात दवरून पळून वता. ताका पळटा तो पळोवन कांकणकार

आड्डता)

कांकण : आरे, म्हजी मुस्तायकी! म्हजी मुस्तायकी!

(घोवयो मुखावयल्या दारांतल्यान भायर येता. एका हातांत दांडो आनी एका हातांत कांकणांच्यो माळो आसात. फाटोफाट चतुरा भायर येता.)

घोवयो : मागीलदाराच्यान पळून गेलो म्हण सुटलो. तरी लेगीत भेंडाचेर एक दांडो पडलोच.

चतुरा : चड नेटान मारलो ना न्हय?

घोवयो : तुकां कित्याक इतली काकूळट?

चतुरा : ताच्या भेंडाखातीर न्हय, तुज्या दांड्याखातीर. तुकां तो गरजेचो न्हय?

घोवयो : गरजेचो. पूण म्हजेखातीर न्हय. तुजेखातीर. तुकां हांगासर कांकणां घाल म्हण सांगिल्लीं, तूं बायल त्या दादल्याक घेवन भितर कशी गेली?

चतुरा : तोच म्हणपाक लागलो-

घोवयो : कितें म्हणपाक लागलो?

चतुरा : हांगासर काळोख आसा. भितर बरो उजवाड आसतलो, आमी भितर या.

घोवयो : भायर काळोख आनी भितर उजवाड?

चतुरा : अशें ताणें म्हणलें!

घोवयो : उजवाड आनी काळोख म्हणपाक ताका दिसपाक नाका? कुड्डो तो.

चतुरा : कुड्डो कसलो? फटकिरो कुड्डो.

घोवयो : हय. तेंवूय खरेंच. पूण तो फटकिरो म्हण तुका केन्ना कळ्ळें?

चतुरा : बरें उसरां कळ्ळें.

घोवयो : उसरां?

चतुरा : उसरां म्हणजे भायर कळ्ळें ना पूण भितर घरांत वचनाबरोबर कळळें

घोवयो : कशें?

चतुरा : कांकणां घालून जालीं तरी केदोवेळ म्हजो हात सोडीचना जालो.

घोवयो : मागीर?

चतुरा : मागीर म्हाका दुबाव आयलो.

घोवयो : कसलो?

मदन : हो कुड्डो न्हय. हाका बेस बरें दिसता

घोवयो : मागीर?

चतुरा : मागीर हावें म्हजो हात ताच्या हातांतलो सोडोवन घेतलो.

घोवयो : शाब्बास! मागीर?

चतुरा : मागीर ताच्या कानपटार एक फुलयलें.

घोवयो : आनीक शाब्बास! मागीर?

चतुरा : मागीर तुवें बोवाळ केलो. भितर येवन ताका दांड्यांनी मारलो. तो कांकणां सांडून पळून गेलो.
(कांकणकाराक पळोवन. तो उक्तें आंग चोरून रावला.)
आंवय! हो कोण?

घोवयो : हो खरो कांकणकार. तो सांडून गेलो ती हागेलीं कांकणां. (ताचेकडेन कांकणा दिता.)

कांकण : कांकणां मेळ्ळी. पूण म्हजी मुस्तायकी?

घोवयो : ती ताचेबरोबर पळून गेली. चल, ताका सोदीत चल.


कांकण : खंय?

घोवयो : खंय म्हणून आमकां कितें विचारता? कांकणां आनी मुस्तायकी पांच रुपयांक भाड्याक दितना कळनासलें तुका? नाटकाच्यो वस्तू आनी कपडे भाड्याक दिवचे तशें केलें तुवें.

कांकण : परत केन्नाच करचो ना.

चतुरा : (पयशे दीत) हे तुज्या कांकणांचे पयशे.

घोवयो : चल, झूर हांगांसरलो.
(कांकणकार कांकणां घेवन वता.)



कांकणकार फटकिरो जावं. हाताक चडयल्यांत तीं कांकण खरीं आसात न्हय?

चतुरा : सामकीं खरीं. (दाखयत) पळय, कितलीं सुंदर आनी आवाज पळय कसो. सामको खणखणीत. आतां हांव खंयूय आसल्यार म्हाका सोदून काडपाक तुका सोपें.

घोवयो : (परत दुबावान) म्हाका एक कळूंना.

चतुरा : कितें तें?

घोवयो : तूं त्या फटकिऱ्या कांकणकाराक घेवन भितर गेलीच कशी?

चतुरा : सांगलें न्हय,

घोवयो : कितें?

चतुरा : ताणेंच म्हणलें, भायर कडकडीत वोत आसा. भितर बरी सांवळी आसा. भितर या.

घोवयो : (फट समजून) अशें! फक्त तोच फटकिरो न्हय. तुंवूय फटकिरी आसा.

चतुरा : हावें कसलीं फटींगपणां केल्यांत?

घोवयो : फट मारतल्या मनशाक सदांच एक गजाल करपाक जाय.

चतुरा : कसली गजाल?

घोवयो : आपूण कसली फट मारतां तें नीट बरें ध्यानांत दवरूंक जाय.

चतुरा : आतां बरें आसा. दुसरे फावट हांव ताची काळजी घेयन.

घोवयो : (उस्वास सोडून) आयचो दीस असोच सरलो.

चतुरा : तूं आयजूय जेवचोना?

घोवयो : ना.

चतुरा : कालचेभशेन आयजूय पोट भरलां?

घोवयो : कालचेंच जिरूंना.

चतुरा : तुकां जाय तें कर. म्हाका भूक लागल्या.

घोवयो : जाणां हांव, तुजी भूक खर.

चतुरा : तुकां जाय तें म्हण.
(भितर वता.)

घोवयो : (मुखार येवन) खऱ्यांनीच, हे बायलेचे घडे आतां भरले. याराक कांकणकाराचें संवंग घेवन घरांत रीगयलो आनी म्हाका घोवयो केलो. खणटल्याक पेज आनी न्हिदतल्याक शीत, तशें जालें. हांवें रातभर राखलें आनी दिसाचें वगडायलें. पूण पळोवया आनीक कितले दीस चलता तुजीं कवनां आनी नाटकां! एक दीस तुकां म्हजे देवीमुखार प्रमाणाक उबी रावचीच पडटली. आनी देवी तुकां फुक्यासवाय सोडपाक ना. म्हजे देवीक वळखून नकळो तूं चतुरा. आतां कालचोच उपाय करतां आनी सगळी रात जागयतां. पोंवटी चिरिल्लीच आसा तातूंत नव्यान मिरसांगां पिठो भरतां. आवयस्! कितले जाळ पडटात, पूण कितें करतलों? दुसरो उपाय ना.

(भायर वता. कांयवेळान एक जाणटेलो कमराक बाग घालून थरथरत येता. ताणें खांदार कांबळ वडयल्या. हो जाणटेलो आबो. म्हणल्यार आबोचें संवंग केल्लो मदन. पिक्यो खाड-मिश्यो लायल्यात. हातांत दांडो आसा. कंबराचेर दांड्याची दूख आजून आसा.)

आबो : (उलो मारीत येता.) चतुराऽऽ बाय चतुराऽऽ पोर न्हिदलां आसतलें. न्हिदूनी. ताका आनी उठोवपाक नाका. दीसभर वावर करून पोराक पुरो जालां आसतलें. गुणांचें पोर! सामकें गुणांचें. आयकल्ले भितर घोव खुबूच दुबावी खंय! चतुराक कसोच पातयेना. रात रात जागरणां करून तिका राखता. ताचोच म्हण गुन्यांव ना. दादले भोंवर जावन घरा भोंवतणी घुंवडाळ्यो काडपाक लागले जाल्यार ताणें म्हण बाबड्यान कितें करपाचें? तातूंत तो घोवयो!

(इतल्यान मुखावयल्यान घोवयो येता. आबो ताका दटायता.)

पळय, हांव म्हणटां थंय आसा. जाल्यार हो एकलो हजर. तूं इतल्या तिनसांजच्या पारा हांगा कित्याक? हो वेळ असो

लोकांल्या भितोड्यांनी भोंवपाचो? लज दिसना रे तुकां?

घोवयो : ए जड्ड्या, तूं कोणांक तापयता? आदीं तूं कोण तें पयलीं सांग. आमोरेच्या वेळार तुजी मान्तूक हांगां म्हज्या घराकडेन कशी?

आबो : तुज्या घराकडेन म्हणजे तूं चतुराचो घोव? पाड पडलें मरे म्हजें. हावें तुकाच चोर केलो. तूं चतुराचो घोव? घोवयो म्हणटा तो तूंच मरे?

घोवयो : कितें?

आबो : हांव जाणां, तुका घोवयो म्हण चाळयतात. पूण हांव तातूंतलो न्हय. ह्या जाणटेपणांत म्हण कोणांक चाळोवं येता? आतां चाळोवन घेवपाची पिराय आमची. आतांच तुवें म्हणलें ना, जड्ड्याऽऽ

घोवयो : रागान म्हणलें हावें तशें.

आबो : बरोबर. रागाक आनी मोगाक दोळे नासतात. म्हणजे तुज्या रागाक आनी म्हज्या मोगाक दोळे ना.
आमी दोगूय कुड्डे. कुड्ड्यांक कांय गजाली माफ.

घोवयो : हांगां लोक कुड्डेपणाचीं नाटकां करतात.

आबो : कुड्डेपणाचीं नाटकां? हय. हय. असलीं नाटकां करपी जायते आसात. कुड्डेपणाचीं, भेड्डेपणाचीं, जड्डेपणाचीं नाटकां करपी. पूण हांव बाबा तातूंतलो न्हय. हांव आबो म्हणल्यार आबो. पळयिल्लेभितर तूं म्हाका वळखलोनासो दिसता. आरे, हांव आबो. ह्या गांवच्या पोंताक म्हजें घर. घर कसलें? खोपूट. तुज्या घराक लागपाचें न्हय. आरे, तूं म्हाका वळखना आसत पूण हांव तुका बेस बरो वळखतां. आरे, तुजो बापूय आनी हांव सामके इश्ट. भुरगेपणांतले लंगोटीयार. तुकां नागडो पळयला हावें. तुजो बापूय आनी हांव, आमी एकाच गांवांत जल्मले, एकीचकडेन वाडले. एकेच शाळेंत शिकले. एके एके बायलेकडेन लग्न जाले. दोगांकूय एक एक भुरगें जालें. दोगांय

भुरग्यांची लग्नां जालीं. आनी आमी दोगूय वांगडाच मेले.

घोवयो : वांगडाच मेले?

आबो : म्हणजे तुजो बापूय मेलो आनी हांव आजून जितो आसा. आतां म्हाका सांग, ह्या जाणटेपणांतल्या जीण्यांक जगप म्हणपाचें? हांव जितो आसून मेल्यासारखोच. आतां तरी वळखलो म्हाका?

घोवयो : (कांबळ पळोवन) वळखलों. हें कांबळीवेल्यान वळखलों.

आबो : आं. तर आतां कशें जालें? तुजी बायल चतुरा म्हूण शेगुणांची आं. आरे, कितें सांगूं?

घोवयो : तिणें सांगलां सगळें.

आबो : ती सगळें कितें कपल सांगतली? नाका नाका म्हणटा आसतना म्हज्या आंगार कांबळ वडयली. आरे, च्या घेवन वच म्हण आग्रो करी. हावेंच म्हणलें, कांबळ दिली तितली खूब जाली आनीक कांय नाका. पूण तुजे कांबळीन म्हजो घात घेवपाचो आं. म्हणून ती बेगीबेगीन परत घेवन आयलों.

घोवयो : कसलो घात?

आबो : आरे कितें सांगू? कांबरून घरा गेलों जाल्यार म्हजी सून हातांत दांडो घेवन दारांत उबी. मात कळाव जाला जाल्यार दांडो म्हज्या भेंडार.

घोवयो : पूण कित्याक?

आबो : तिचो म्हण गुन्यांव ना. असोच काळोख जाल्लो न्हय. कांबळी भितरलो तिका हांव सारको दिसलोचना. ती समजली कोळोहुंदीर!

घोवयो : कोळोहुंदीर? येदो व्हडलो?

आबो : तेंच सांगता न्हय! ह्या गांवांत हांगचें थंयचें खावन येदे व्हडले कांय कोळे हुंदीर मातल्यात खंय. ते हांगा थंय, घरांचे भितोडेक भोंवतात खंय!

घोवयो : खरी गजाल?

आबो : म्हजी सून सांगताली न्हय, खरी सून ती. ती फट कित्याक सांगतली? तर अशी ही तुजी कांबळ. जावं! म्हजी त्या दिसा गरज भागली. तुगेली चतुरा म्हण शेगुणांचें पोर! आतां इतल्या शिंयान ती भितर एकलीच न्हिदल्या?

घोवयो : म्हणजे?

आबो : म्हणजे तिका शीं खायना – तिका भंय दिसना?

घोवयो : कसलो भंय? हांव भायर आसा तो?

आबो : कालचेभशेन आयजूय जागरण काय कितें?

घोवयो : कालचेभशेन? तुकां कशें कळ्ळें?

आबो : दोळ्यांवयल्यान. तुजे जागरणाचे दोळे उलयतात. अशी रातीची न्हीद ना येवपाक तूं करता तरी कितें?

घोवयो : पुर्वजांचो उपाय.

आबो : कसलो पुर्वजांचो उपाय?

घोवयो : (पोंवटेवयर न्हेसण काडून) पळय. पोंवट चिरून तातूंत मिरसांगेचो पिठो भरला.

आबो : आवयस! भरलेलो बांगडो कसो तुवें आपल्याकूय भरून घेतला?

घोवयो : असलो उपाय केल्यार कशी न्हीद येतली तें सांग.

आबो : न्हीद खंयची, न्हिदेची आवय आनी बापूय लेगीत येवचो ना. पूण हांव म्हणटां, हें असलें जगप कित्याक?

घोवयो : (चाळोवन) ते शेगुणाचे चतुराखातीर.

आबो : चतुराखातीर? तिणें कितें केलां?

घोवयो : कितें करपाचें बाकी दवरलां तें विचार. कसलीं कसलीं कवनां करून तिगेले यार तिका सोदपाक येतात. ही तांकां जल दिता. कोळेहुंदराची एक गजाल सोड. ते सगळ्या गांवभर जाल्यात.

आबो : हें पळय, फळां आसात त्या झाडाचेर येतो–वेतो फांतर मारतलोच. थोड्यांचो धंदोच तो आसता. यारगिरी करप. पूण

सदांच आपलें नाणें सारकें आसूंक जाय.

घोवयो : तेंच तर खोटें न्हय. पूण हांव तिका सोडपी न्हय. पुराव्यासयत धरपी आनी देवीमुखार उबी करपी. देवीनच आमची लग्नगांठ बांदिल्ली.

आबो : देवी?

घोवयो : हय. आमच्या पूर्वजांची देवी! निद्रादेवी! न्हिदाडोदेवीय म्हणटात तिका.

आबो : ती कितें करता?

घोवयो : ती खऱ्या खोट्याचो निवाडो करता. वायट चलणुकेचे अस्तुरेक ती तिगेले तरसादीन उब्यांनीच हाणटा. पवित्र आसल्यार माथ्यार फुलांचो शिंवोर करता. तूं म्हज्या बापायचो इश्ट आनी तुकां हें खबर ना?

आबो : आसा. आसा. पूण हांव म्हणटां, हो असलो मिरसांगेचो पिठो, जागरणां, तरसादी असले अघोरी उपाय कित्याक? कांय गजाली समजिकायेन जावं येता.

घोवयो : कसली समजिकाय? चतुराक कितले फावट समजायली. पूण सुण्याची शेंपडी वांकडी ती वांकडीच. आपूण शेण खावन दुसऱ्याच्या तोंडाक हात पुसपी ती. समजयतलो, धपकायतलो जाल्यार घरांत जाणटो मनीस कोण ना. तिचो बापूय आसा. पूण आसून नासून तो सारखोच.

आबो : बरोबर. तुजो एक बापूय आशिल्लो तोवूय मेलो आनी हांवूय मेलों.

घोवयो : तूं खंय मेला?

आबो : सांगलें न्हय, ह्या जिण्याक जिणें म्हणपाचें? तूं म्हाका पुतासमान खरो पूण पुताचें दुःख हांव दयडिरो ल्हव करुंक शकना.

घोवयो : तुवें मनार घेतल्यार शक्य आसा!

आबो : अशें म्हणटा? म्हणजे हरवें सोदतल्याक भाजिल्लें मेळिल्लेभशेन जालें.

घोवयो : कितें?

आबो : कांय ना. हांव मनार घेतांच. तुज्या बापायनूच जायते उपकार केल्यात म्हजेर. त्या उपकारांतलो थोडो तरी भायर सरतां. तुगेले ते चतुरेक लाडी-गोडी लावन बरेतरेन समजायतां. आनी समजून घेना जाल्यार तुगेले ते न्हिदाडो देवीक आनीक उठोवं नाका. हांवूच हिचो कपाळमोक्ष करता. तसो म्हज्या जाणटेपणाचेर वचूं नाका. म्हाका सुमाराच्यो कड्डी नात. (आडेचो राग) लग्न जाल्या म्हज्या पुताकडेन आनी रंग दुसरेकडेन म्हणजे कितें? आजूच काम करतलों आसलों पूण आतां रात जाली. घरा पावपाक जाय. तसो म्हजो हुस्को कोण करचोना पूण म्हाका म्हज्या जिवाचोच हुस्को. काळखांत खंयूय पडलों जाल्यार? जून हाडां मोडलीं जाल्यार पडलों हाथरुणार! मागीर पुता कोण आसा? अशें करतां, आयची रात सोंस. फाल्यां सक्काळीं येतां.

घोवयो : तेपरस अशें कित्याक करीना? आतां आयिल्लोच आसा. आयज राव आनी सक्काळीं चल.

आबो : पूण ती आतां न्हिदल्या आसतली.

घोवयो : येन्नाच न्हेदपाक दीसभर कितें वावराचे दोंगर उसपिल्यात? (उलो मारता) चतुराऽऽ चतुराऽऽ

चतुरा : (दोळे चोळीत भायर येता.) कितें जालां? तुंवूय न्हिदना आनी न्हिदतल्याकूय न्हिदपाक दिना.

घोवयो : कोण आयला पळय.

चतुरा : कोण?

आबो : (पयल्यान पयलीं सांगता.) बाय चतुरा हांव-

घोवयो : (ताका थारायत) कोण सांग?

चतुरा : हांव खंय कोणांक वळखतां?

आबो : (कांबळ नाचयता, घोवयो ताका थारायता) हे कांबळीक तरी-

चतुरा : कोण कांबळी? हांव कोणां कांबळी बिंबळीक वळग्वना. हांव चल्लें. म्हाका न्हीद येता.

घोवयो : हाका भितर व्हर.

चतुरा : हो कोण? आनी हाका हांव कितें म्हणून भितर व्हरुं? तुकां दादल्याक कितें लज भीड आसा काय ना?

घोवयो : आसा गो आसा. घोळोवन पिवंना हांव. हो आबो तुजीं हांगां गुणवर्णनां गायता जाल्यार तूं ताकाच वळखना म्हण सांगता? पळय आबो, तुजे शेगुणाचे चतुरेक पळय.
(लक्षांत येवन. बेगीबेगीन आबोच्या पांयां पडटा.)

आबो : (घोवयाक) पळय, पोराची लक्षणां पळय. वळख पटनाफुडें पांयार घालून घेतलें.

चतुरा : आबो, म्हाका माफ केलेबगर हांव हीं चरणकमळां कशींच सोडचें ना.

आबो : तातूंत माफ करपाचें कितें? पयलीं पांय सोड. चलून चलून पांय दुखल्या म्हजे.

घोवयो : ताच्या पांयांक बरें तेल काड. म्हज्या बापायचो इश्ट तो. तुकां मांवाची सेवा करपाची केन्ना संद मेळ्ळी ना न्हय.
(चतुरा मान हालयता.)
आनी आबो कितें सांगता तें चत्रायेन आयक.



चतुरा : बरेभशेन. आबोचें हांव उतरान उतर आयकतां.

आबो : जांव. कांबळीच्या निमित्तान एक नातें तरी जुळून आयलें.

घोवयो : जुळिल्लें आशिल्लेंच. कांबळीच्या निमतान जागृत जालें!

आबो : (कवतुकान) चतुरा, घोवयो म्हणल्यार बरोच हुशार आसा मुगो हो म्हगेलो जांवय! तूं खरेंच भाग्यवान!

चतुरा : आबो, सगळीं उतरां जांवयाचेरूच उधळूं नाका. थोडीं म्हजेखातीर दवर.

घोवयो : चल, आबोची बरेतरेन बडधास्त दवर. सर्गांतल्या बापायच्या आत्म्याक श्राद्धादिसा मेळटा तशी तृप्तताय लांबूक जाय.

(चतुरा खोशयेन भितर वता.)

आबो : लाबतली. तुज्या बापायच्या आत्म्याक शांतीकाय लाबतली.

(आबो मागीलदारावट्यां वता.)

घोवयो : आबो, तेवटेन मागीलदार.

आबो : आं. हय न्हय? (आपले भितर) चोराच्यो वाटो चोरूच जाणां. (ताका) आनी तूं येना?

घोवयो : ना. हांव हांगां भायर बसून रावतां.

आबो : पूण...

घोवयो : आबो, तूं वच.

आबो : (निश्चेव करून) हांव तुकां खात्री दितां चतुरेच्या घोवा, फाल्यांसावन तुका अशीं भायर जागरणां करचीं पडचींनात. चतुरेक हांव समजायतां. (कांबळ ताका दीत.) घे, म्हाका आतां कांबळ कित्याक? तुकांच गरज तिची.

(भितर वता.)

घोवयो : म्हजे देवीनूच ह्या आबोक हांगां हाडलो. नाजाल्यार इतले रातचो हो जाणटेलो कांबळीच्या निमतान हांगां येता कितें, राव म्हणल्यार रावता कितें, समजाय म्हणल्यार चतुरेक समजायता कितें! सगळो दैवयोग!

(एके कडेक बेबदो दा येता आनी घोवयाक हडकिता.)

दा : घोवयाऽऽ घोवयाऽऽ

घोवयो : (अजापान) अं. येदे रातचो म्हाका कोण चाळयता केदी मस्ती!

दा : घोवयाऽऽ घोवयाऽऽ

घोवयो : असो मुखार यो रे. दडटा कित्याक?

दा : (येत) मुखारुच येता. पूण ती भायर ना न्हय, चतुरा. म्हजी धूव.

घोवयो : कोण बेबदो दा रे?

दा : बेबदो न्हय. फक्त दा. तिचो दा आनी तुजोय दा.

घोवयो : भंगलो तूं! यो.

दा : खबरेक आयलां तुजें.

घोवयो : खबरेक येवपाक रातचो वेळ बरो सांदून काडलो.

दा : म्हणलें, दीसभर सगळोच बोवाळ. खबर घेवपाक रातचो शांत वेळ बरो. तुजें कितें जाग्यार पडटा काय ना?

घोवयो : पडटा.

दा : पडटा जाल्यार ह्या रातच्या वेळार तूं भायर कसो?

घोवयो : तो भितर आसा.

दा : तो? तो कोण?

घोवयो : आबो.

दा : आबो? कसलो आबो?

घोवयो : शेणाचो! कसलो आबो म्हणजे कितें? आबो सारखो आबो. तुजेपरस अदीक पिरायेचो जाणटो मनीस तो.

दा : तो भितर कितें करता?

घोवयो : तुकां धुवेक अक्कल शिकोवपाक जमलें ना. तें काम तो करता.

दा : समजुंना म्हाका. म्हजी तकली घुंवपाकडेन पावल्या.

घोवयो : केन्ना सारकी आसता ती?

दा : आतां मातशें पेटयल्याबगर कांयच खरें न्हय. म्हज्या हातार कितेंय वडय.

घोवयो : हातार कित्याक कानपटार वडयन हांव.

दा : आरे, तूं जांवय म्हजो. अशें कितें उलयता? जगून जगून आनीक कितलो तेंप जगतलो तूं? ना, ना हांव. आनी तुज्यो असल्यो करण्यो पळयल्यार म्हजी कांय धडगत ना. भोगूं रे तुजें! ह्या रातच्या वेळार तूं भायर आनी तो आबो भितर.

घोवयो : तो आबो म्हणल्यार म्हज्या बापायचो इश्ट. बापायचो लंगोटीयार. थंय गांवच्या पोंताक ताचें घर.

दा : आबो! तुज्या बापायचो लंगोटीयार! गांवच्या पोंताक घर! आरे, कशें शक्य आसा? तुज्या बापायक कोण इश्ट-बीश्ट केन्नाच नासलो. आनी खंयचो आबो? ह्या गांवांतल्या जड्ड्या-जाण्ट्यांक हांव वळखतां. ह्या गावांत एक आसलो तातो, एक आसलो बाबा, एक आसलो आबो आनी एक आसलो दा. तातो फाटल्या चैत्रांत सोंपलो, बाबा वैशाखान वयर गेलो, आबो ज्येश्ठान खंवसलो आनी हो उरलेलो दा-

घोवयो : (आपलेभितर) बेबदो दा.

दा : खंयच्च्याय खिणांक उडपाक शकता.

घोवयो : बेगीन उडटा तितलो हांव सुटटलों.

दा : बरें आसा. मेकळो करतां तुकां. दी. (हात मुखार करून)

घोवयो : हें कितें दिता तें निमाणें.

दा : म्हणजे तुकांय भीक लागली? हें निमाणें म्हणटा तो.

घोवयो : वयल्यान सुबेजणां!

दा : तुगेल्या दळदिरपणामुखार हीं सुबेजपणां परवडलीं.

घोवयो : (नाईलाजान पैशे दीत) घे.

दा : पूण तुकां एक सांगतां. एक न्हय, दोन गजाली सांगतां. पयली गजाल म्हणल्यार म्हजी धूव चतुरा हरशीं कशीय आसूं पूण एका उतराची आनी एका तत्वाची. (वचपाक लागता.)

घोवयो : (याद करून) दुसरी गजाल उरली.

दा : आं. दुसरी गजाल. ह्या गावांत आबो नांवाचो कोणूच जाणटो मनीस ना. (वता.)

(भितरसावन आबोचो चतुराक समजावपाचो आवाज)

आबो : चतुरा, ह्या आबोचें आयक. हांव जें सांगतां तें तुज्या बऱ्याचें. तुज्या बऱ्याचें, तुज्या घोवाच्या बऱ्याचें आनी म्हज्या लेगीत बऱ्याचें. (खांक येता.)

चतुरा : आबो विसव घे. मागीर उलोवया.

आबो : ना. तुज्या प्रकरणाचो सोक्षमोक्ष लायलेबगर ह्या तुगेल्या

आबोक विसव ना.

(परत खांक काडटा. हेवटेन घोवयो खूश जाता. त्याच नेटार विडी काडटा आनी घोस्तान ओडटा. एके कडेक बसता.)

(काळोख)

देखाव – चवथो

(कांय वेळान ल्हवू ल्हवू उजवाड जाता. म्हणल्यार सकाळचें उजवाडटा. कोंब्याचो, सवण्यांचो आवाज. आंगणांत उजवाड जाता. दारांत आबो आनी चतुरा आसा.)

चतुरा : मदन रंगा, तुगेलें आबोचें संवंग बेस बरें रंगलें.

मदन : कालचो कंबरार पडिल्लो दांडो बऱ्याक पडलो. दांड्याचे दुखीन आपशींच कंबर बागवलें.

चतुरा : आतां सारखें जालें काय ना?

मदन : जालें तर. तुवें कंबराक तेल काडलें ना?

चतुरा : आतां परत केन्ना?

मदन : आतां एक चार दीस खंयूय वचून हातपांय हालोवन चार पैशे जोडटां म्हणटां. असो बेकार म्हणून कितले दीस भोंवतलों?

चतुरा : चार दीस! आवयस!

मदन : चार दीस आनी चार राती अशोच उडून वतल्यो.

चतुरा : परत कसो येतलो?

मदन : कसलेंतरी संवंग घेवन येवचें पडलेंना? मदांध जालों, कोळेहुंदीर जालों, कांकणकार जालों, आबो जालों, आतां कोण जावपाचें तें पळोवया.

चतुरा : तूं कोणय जावन यो. हांव ताका कसो गुठलावपाचो तें जुस्त

करतां. अक्कल आशिल्ल्याक भांडवल नाका. ताणें पोंवटी चिरून मिरसांगे पिठो घालूं नातर मिरयां घालूं! (गंभीर जायत) पूण मदनगा, हें अशें कितलो तेप चलपाचें?

मदन : म्हणजे?

चतुरा : कितलो तेप म्हण अशीं संवंगां घेवन येतलो? तुजें खरें रूप केन्ना प्रगट करतलो आनी म्हाका हांगासावन घेवन वतलो?

मदन : धीर धर चतुरा.

चतुरा : त्याच धीराचेर तर जगतां न्हय. पूण असो कितलो तेंप?

मदन : जाता तितले बेगीन तुकां हे बंदखणींतल्यान मेकळो करतलों. आतां आंगांत बळ आयलां. तुज्याच प्रेमान म्हाका हें बळ दिलां. युक्ती आनी शक्ती एकठांय करून तुकां हांगासावन घेवन वतलों आनी म्हज्या काळजाची राणी करतलों.

चतुरा : हांव आसाच तुज्या काळजाची राणी. (मुक्तक) *राजा रे राजा,*
पयस म्हाका व्हर,
तुज्या काळजाच्या कुरकुटांत धांपून म्हाका दवर.
तूं भोळो शंकर, हांव तुजी गवर,
वयर वयर पर्वतार पयस म्हाका व्हर.

मदन : *राणी तुकां व्हरतलों.*
झगडीं-झुजां मारतलों,
दुस्मानांक कापतलों,
दोंगर-आडे हुपतलों,
अंती तुकां जिखतलों,
पयस पयस व्हरतलों.

चतुरा : *तूं म्हजो राजा आनी हांव तुजी राणी,*
तुकां बसपाक पाट म्हाका पुरो म्हणी.

मदन : *तूं म्हजी राणी हांव तुजो राजा,*
तुज्या गोपाची म्हाका पुरो सजा.

चतुरा : *रंगा रे रंगा, मदनाच्या रंगा,*

हांव तुजी राधा, तूं श्रीरंगा!

मदन : *चतुरा गो चतुरा,*

सवण्या-किटुरा,

तुजीं-मजीं सपनां उबेंवदी घोटेरा!

(इतल्यान भायरसावन घोवयो येता. ताका पयलीं चतुरा पळयता. मदन रंगाची फाट आसा.)

चतुरा : आबो, आबो!

मदन : आबो? खंयचो आबो? आबो सोंपलो.

चतुरा : आबो सोंपूना. आबोऽऽ

(चतुरा ताका कुरवांनी समजायता. ताका समजावणी मेळटा. तो भानार येता. मदन आशिल्लें तशें आबोचें संवंग करता.)

आबो : चतुरा, हांवें सांगलां तें बेस बरें मतिंत धर. तातूंतच तुजें कल्याण आसा. तुज्या घोवासारखो घोव मेळपाक साता जल्मांचें पुण्य जाय.

चमेली : आबो, हांव तुज्या उतराभायर ना.

मदन : शाब्बास! म्हजे सुने शाब्बास! आयज हांव धन्य जालों. येतां हांव. गांवच्या त्या पोंताक घर न्हय? बेगीन वता तितलो बरो. तुगेल्या घोवाक सांग हांव गेलों म्हणून.

चमेली : हो पळय तो हांगाच आसा.

मदन : (आतांच पळयिल्लेवरी करून) चतुराच्या घोवा, तुजें काम जालें. येतां हांव. घर पयस न्हय? पावपाक जाय. (घोवयो ताका बारीकसाणेन पळयता. काल लायिल्ल्यो खाड-मिश्यो नात. अजापता.)

घोवयो : आबो, तुज्यो खाड-मिश्यो खंय?

(मदन आनी चतुरा दोगांय काचाबूल जातात. दोगांयच्या आतां लक्षांत आयलां.)

आबो : खाड-मिश्यो त्यो आतां म्हाका कित्याक?

घोवयो : म्हणजे?

आबो : म्हणजे कितें तें चतुरा सांगतली. हांव चल्लों.
(गडबडीन वता. घोवयाक दुबाव उरताच. तो चतुराकडेन पळयता. चतुरा बेगीबेगीन भितर वता. घोवयो आबोफाटल्यान धांवता.)

घोवयो : आबो, आबो, हें कितें गौडबंगाल?

आबो : तें तुकां चतुरा सांगतली. म्हाका आतां काम आसा.

घोवयो : पूण आबो –

आबो : ना, ना, हांव चल्लों. म्हजी फाट सोड.

घोवयो : ना, ना आबो. म्हजी खात्री पटलेबगर हांव तुकां सोडचो ना
(माचयेर हेवटेन तेवटेन धांवतात. घोवयो ताच्या धोतराक हात घालता.)

आबो : आरे, हें कितें म्हजें हांगा वस्त्रहरण करता? सोड म्हणटां न्हय.

घोवयो : ना ना. सोडचोना.
(आबो भितर धांवता. फाटोफाट घोवयो धांवता.)

चतुरा : सायबिणी म्हजे! हो दादलो ताका कसोच सोडपाचो ना. मदन रंगा हाच्या हाताक लागना जाल्यार पुरो. नाजाल्यार सगळें संवंग हांगाच उकतें जातलें. देवी म्हाका पाव गे! पूण हे देवीचोय भरवंसो ना. न्हिदून पडल्या आसतली उब्याचे उबी. (भितर पळोवन) सायबा भोगोस! ह्या दादल्यान कितें केलें ताचें? म्हज्या मदन रंगा! तुज्या जिवाक कांय लागना जाल्यार पुरो. हो दादलो परतता. (चिंतून) बेगीन घरांतक वचून आयल्यार बरें.
(बेगीबेगीन घरांत वता. भायरसावन घोवयो परतता. ताच्या हातांत धोतर आसा. तो तें कवळीत येता.)

घोवयो : धोतरांतलो मनीस पळून गेलो. धोतर धरलें. कसलो जाणटो आनी कसलो आबो! नेणट्याक फाटीं काडपी. धांवता कसो तुरुतुरू. आनी धोतर सुट्टा म्हणून पर्वा आसा तर? ना. आनी धोतराची पर्वा कित्याक आसतली? तें आडेचें. सुटल्यार जालें.

जीव खरो. तो सांबाळपाचो. जीव आसल्यार भीक मागून खायन अशें म्हणून पळून गेलो. बेबद्या दा न सांगलेली ती दुसरी गजाल खरी. ह्या गावांत आबो नांवाचो कोणूच जाणटो मनीस ना. जांव! (धोतर दाखोवन) इतलो तरी पुरावो हाताक मेळ्ळो. (उलो मारुन) चतुराऽऽ ए चतुराऽऽ (दुबावान) ही आतां भितर कित्याक गेली?

(चतुरा बेगीबेगीन भायर येता. तिच्या हातांत भरिल्लो पेलो आसा.)

घोवयो : (धोतर मुखार करीत) घे –

चतुरा : आंवय! हें कितें?

घोवयो : आतां आंवय? धोतर.

चतुरा : तें म्हाका कित्याक?

घोवयो : तुकां नाका जाल्यार तुज्या बापायक उपकारतलें.

चतुरा : नांव काडूं नाका ताचें. आनी म्हजे अस्वडीं तो हांगासर येता अशी सुलूस लागल्या म्हाका. तुकां आदींच सांगून दवरतां. तो मनीस–बापूय आसलो तरी म्हाका दोळ्यांमुकार नाका.

घोवयो : तो नाका तें जालें आनी जाय कोण? जाणटेलो आबो?

चतुरा : आबोक कित्याक वयर काडटा?

घोवयो : वयर खंय काडटां? हाताक मेळिल्लो जाल्यार फोणांत घालतलो आसलों ताका. हो आबो कसलो? तोवूय त्या कांकणकारासारखो नकली.

चतुरा : नकली कित्याक? आबो सारखो आबो. तुवें पळोवंना तुज्या दोळ्यांनी?

घोवयो : पळयलां म्हण सांगतां न्हय, काल तो जाणटो. आयज तरनाटो. काल ताका दाढी–मिश्यो आशिल्ल्यो. आयज खंय गेल्यो?

चतुरा : खंय गेल्यो म्हणजे? काडल्यो.

घोवयो : काडल्यो? रातोरात काडल्यो?

चतुरा : रातोरात कित्याक? सकाळीफुडें काडल्यो.

घोवयो : पूण कित्याक?

चतुरा : काम जालें. काडल्यो.

घोवयो : कसलें काम?

चतुरा : कसलें काम सोंपयिल्लें तुवें ताचेर ? तें.

घोवयो : पूण त्या कामाचो नी खाड–मिश्यो काडपाचो संबंद कितें?

चतुरा : संबंद आसा.

घोवयो : कसलो संबंद?

चतुरा : ताणें त्यो खाड–मिश्यो आपणाले सुनेच्या रागान दवरिल्ल्यो. एक दीस खंय हाणें खाड करपाक सुनेकडेन वाखोर आनी शाबू मागलो जाल्यार तिणें दिलो ना–जाल्यार हाणें रागान खाड–मिश्यो वाडयल्यो.

घोवयो : वाडयल्यो तें बरें आसा. ताचेकडेन आमचो कांय संबंद ना.

चतुरा : हावें ताका म्हणलें, सुनेन तुकां रागान वाखोर आनी शाबू दिलो ना, म्हणून तुवें ह्यो खाड–मिश्यो वाडयल्यो जाल्यार आतां तीच सून तुकां मोगान वाखोर शाबू दिता जाल्यार तूं खाड–मिश्यो काडशी? आबोक तें पटलें आनी सकाळीं उठनाफुडें ताणें खाड–मिश्यो काडल्यो. तुजोच वाखोर शाबू दिलो ताका हांवें.

घोवयो : मागीर ताणें हें म्हाका कित्याक सांगलें ना?

चतुरा : तो घरा वचपाचे ताकतिकेंत आशिल्लो. वतना ताणें म्हणलें ना, कितें तें चतुरा सांगतली.

घोवयो : ताणें तशें म्हणलें खरें, पूण म्हजो विश्वास ना.

चतुरा : कोणाचेर?

घोवयो : दोगांयचेर. तूं म्हाका शिंगां लावपाक सोदता.

चतुरा : तुकां कितें म्हणपाचें आसा? ताणें नकली खाड–मिश्यो लायिल्ल्यो?

घोवयो : हय.

चतुरा : लायिल्ल्यो जाल्यार रातीं त्यो पडपाच्यो न्हय? हांवें ताचे पांय

चेपले, ताची सगळी सरबरसाय केली. जाल्यार एक्कूय फावट ताचें खाड सुटलें ना. आनी मिशीय पडली ना. तुकां फट दिसता जाल्यार भितर वचून पळय. खाड-मिश्यो खंयूय पडिल्ल्यो आसतल्यो. आनी तुजो वाखोर आनी शाबूय वापरला काय ना तें पळय.

घोवयो : (दुबावान) आतां तूं भितर कित्याक गेल्ली?

चतुरा : त्या खाड-मिश्यांच्या मोगान न्हय, तुज्या मोगान. (पेलो मुखार करीत) घे. कालच्यान तुवें कांय घेवना.

घोवयो : ना. म्हजी खात्री पटलेबगर हांव तुज्या हातचें उदक लेगीत घेवचो ना. (हातांतलें धोतर कडेक वडयता.)

चतुरा : कसली खात्री?

घोवयो : तूं घोव म्हणून म्हजेकडेन बांदून ना. तुजे जायते यार आसात. कोण मधांद, कोण कोळेहुंदराचें संवंग करपी, कोण नकली कांकणकार आनी कोण फटकिरो आबो. तुका आतां म्हजे देवीमुखार प्रमाण जावचेंच पडटलें. म्हजी देवी निवाडो करून तुजो कितें तो सोक्षमोक्ष लायतली.

चतुरा : देवाच्या माथ्यावयलें फूलपासून काडपाक हांव तयार आसा.

घोवयो : देवाच्या काडशी. देवाकूय तूं गुठलायशी, पूण म्हजे निद्रा देवीक तुकां फटोवपाक जावचें ना. (मुक्तक)

देवी म्हजी देवी! निद्रा देवी! जागृत देवी!
तिचेकडेन सुगूर आसा। आमच्या सुखाची चावी
देवीच्या सामखार जावपाक प्रमाण। आसा व्हय तूं तयार?

चतुरा : (तेच पद्धतीन) *हय, आसा हांव तयार। एका पांयार*

घोवयो : *देवी म्हजी देवी! दावें-उजवें नियाळटाली।*
पाप-पुण्य जोखतली। पै-पातक पारखितली।
आसा व्हय तूं तयार?

चतुरा : *हय आसा हांव तयार एका पांयार.*

घोवयो : *देवी म्हजी देवी। हांव आसन बाबत अबर्गत।*

वाजोवपाक दुबळों तिची नबत । पूण देवी म्हजी जागृत दैवत ।
तिच्या हातांत आसा शस्त्र खरवत । आसा व्हय तूं तयार ।

चतुरा : *हय आसा हांव तयार, एका पायार*

घोवयो : *देवी म्हजी देवी! जर तूं आसत पवित्र नार । फुलांचो शिंवर तुज्या माथ्यार । पूण जर तूं आसशी अपवित्र अस्तुरी । धा जाणांक नादाक लावपी गंधाची कस्तुरी । जाल्यार देवी खरवतीन चिरतली तुकां चिरीचिरी । आसा व्हय तूं तयार?*

चतुरा : *हय हांव आसा तयार एका पांयार.*
(नेटान) हय. हांव आसा तयार, एका पांयार.
(चतुरा रागान भितर वता. भायरसावन आड्डत थोंटी येता. एका पांयान लंगडो देखून थोंटी... हो मदन. ताणें थोंटीचें संवंग केलां.)

थोंटी : (आड्डत) देवा रे देवाऽऽ परमेश्वरा रेऽऽ देंवचारा रेऽऽ सोंपलो रे सोंपलो. परवां खातीर सोंपलो. एरवां खातीर सोंपलो. सासणां खातीर सोंपलो.

घोवयो : आरे, आड्डता कित्याक? सोंपलो म्हणटा तें कितें? पावस सोंपलो? सोरो सोंपलो?

थोंटी : सोरो सोंपूना, पूण सोरो पिवपी सोंपलो.

घोवयो : सोंपलो मरे? बरें आसा. मरुंना न्हय कोण?

थोंटी : सोंपलो म्हणजे मेलो.

घोवयो : तूं जितो आसा मरे? मागीर मेल्ल्याक इतली रडपाची गरज ना. आनी तूं कोण? बोबो मारीत म्हज्या दारांत कित्याक आयला?

थोंटी : हांव थोंटी. (चुकून कुटपाचो पांय बदलता.)

घोवयो : खरोच थोंटी?

थोंटी : देवाचो सोपूत. पेडावयल्या देंवचाराचो सोपूत. हांव खरेंच थोंटी.

घोवयो : खंयच्या पांयान?

थोंटी : दाव्या पांयान (गडबडटा.) ना, ना. उजव्या पांयान, खंयच्याय पांयान जायना, थोंटी म्हणल्यार थोंटी. सामको शंबर नंबरी फटी. ना, ना. शंबर नंबरी थोंटी.

घोवयो : भोगूं तुजें!

थोंटी : कसो थोंटी जालो तें विचारचोना?

घोवयो : सांग, कसो जालो?

थोंटी : गोरवांक राखतालों.

घोवयो : गोरवां सारखीं राखलीं ना म्हणून धनयान दांडो घातलो पांयार.

थोंटी : ना, ना. गोरवां मदलो एक बैल मस्तो आसलो. हांगा थंय धांवतालो. तांच्या गळ्यांत हांवें दोरी बांदली.

घोवयो : बरें केलें. दोरी खुंट्याक बांदून घालपाची.

थोंटी : (पांयाक) दोरी ह्या खुंट्याक बांदून घातली आनी मागीर पाड्यान खुंटो हुमटीलो. आनी तेन्नासावन हांव थोंटी जालों.

घोवयो : ही केन्नाची खबर?

थोंटी : पांच वर्सां आदली.

घोवयो : पांच वर्सां आदली खबर, आनी तूं आतां बोबो मारता?

थोंटी : हांव ते खातीर बोबो मारीना. म्हजो दुसरोय पांय मोडल्यार कामा येतालो. पूण म्हजो धीर–आदार गेलो.

घोवयो : कोण मेलो?

थोंटी : बेबदो दा मेलो.

घोवयो : बेबदो का? म्हणजे चतुरेचो बापूय.

थोंटी : चतुरेचो बापूय. तुजो मांव आनी म्हजो अपुरबायेचो मावसो. म्हजे मावशेचो घोव.

घोवयो : म्हणजे तूं चतुरेचो–

थोंटी : मावशेघोव, ना, मावशेभाव. पयसुल्लो.

घोवयो : खंयचो?

थोंटी : फोंडांतलो, ना, ना, फोंडेंचो. आतां आनीक वेळ वगडावं

नाकात भावोजी. वाट धरात.

घोवयो : खंयची वाट?

थोंटी : आनीक खंयची? म्हज्या दाच्या मड्याचेर नदर घालपाक दा गेर चलात.

घोवयो : भोगूं बाबड्या दाचें. काल म्हाका मेळ्ळा.

थोंटी : सांगतालो म्हाका.

घोवयो : काल निमाणें हांवें ताच्या हातार वडयलें.

थोंटी : सांगतालो म्हाका.

घोवयो : आपूण आतां केन्नाय मरपाक शकतां अशें म्हणटालो खरो.

थोंटी : सांगतालो म्हाका.

घोवयो : एक सोरो सोडलो जाल्यार तसो मनीस म्हण वायट नासलो.

थोंटी : सांगतालो म्हाका.

घोवयो : पूण थोंटी–

थोंटी : थोंटी? कोण थोंटी? (याद जावन) आं. सांग.

घोवयो : तुकां खरें सांगू?

थोंटी : कितें?

घोवयो : हांव बेबदो दाचेर नदर घालपाक येना. तशें म्हजें–ताचें नातें आशिल्लें खरें पूण तें तितल्यापुरतें. आमचो सगळो हिशोब तेन्नाच मेकळो जाल्लो.

थोंटी : ऐ रे देवा, भावोजी, तूं येना जाल्यार ताका खूब वायट दिसतलें.

घोवयो : कोणांक?

थोंटी : (कळ्ळून) कोणांक म्हणजे? ताच्या आत्म्याक. ताच्या आत्म्याचे झडून कुडके कुडते जातले.

घोवयो : तूं अशें कर. हांव तुजेकडेन थोडे पैशे दितां.

थोंटी : पैशे? थोंटी जालों म्हणून म्हाका कितें भीक लागूना.

घोवयो : तूं पांयान थोंटी काय तकलेन?

थोंटी : पांयान.

घोवयो : मागीर सारखें आयकून घे. पैशे दितां ते तुकां न्हय. दाच्या मर्णाक.

थोंटी : पूण हांव पैशांक येवंक ना.

घोवयो : खबर आसा म्हाका.

थोंटी : (दुबावान) खबर आसा?

घोवयो : हय. तूं निरोप घेवन आयला म्हाका आनी चतुराक व्हरपाखातीर.

थोंटी : बरोबर. आतां तूं येना म्हणटकूच फक्त चतुरेक घेवन वतां.

घोवयो : खंय घेवन वतां?

थोंटी : खंय म्हणजे? (कल्पनेन) अशी पयस– (भानार येवन) खूब पयस घर तें. तातूंत हांव थोंटी. पूण तूं हुस्को करूं नाका. हांव सगळें वेवस्थीत करतां. (उमेदीन चतुरेक उलो मारपाक वता.) चतुराऽ ऽ

घोवयो : राव. अशा वेळार शांत चित्तान काम करपाक जाय. (मोवाळपणान उलो मारता.) चतुराऽऽ चतुराऽऽ

थोंटी : तुकां बरोच अणभव आसा.

घोवयो : (परत) चतुराऽऽ मातशी भायर यो. भायर कोण आयला तो पळय.

चतुरा : (व्हदळच्या रागान भायर येता.) कित्याक उलो मारलो? भायर कोण आयला जाल्यार हांव कितें आरती घेवन येवं ओंवाळपाक?

थोंटी : (ताका पळोवन हामेल मारता.) चतुराऽऽ

चतुरा : हो कोण?

थोंटी : म्हाका विचारता? म्हाका वळखना?

चतुरा : वळखना म्हण तर विचारता न्हय?

थोंटी : (कुरवो करून) चतुरा हांव थोंटी, थोंटी.

चतुरा : थोंटी तें दिसता.

थोंटी : हांव थोंटी तुजो मावशेभाव. फोंडांतलो. ना, ना, फोंडेंचो.

वळख गो म्हाका, वळख.

चतुरा : तूं फोंडांतलो आसूं नातर मस्णांतलो आसूं. हांव तुकां वळखना. आनी तूं मावशेभाव जावपाक म्हाका मावशी आसपाक नाका?

थोंटी : चतुरा, हांव तुकां व्हरपाक आयलां.

चतुरा : व्हरपाक आयला? खंय? आनी हांव तुजेबराबर कित्याक म्हणून येतलीं?

थोंटी : कित्याक म्हणजे? काय बरो तुजो बापूय मेला आनी तूं येवची ना?

चतुरा : (उमेदन) बापूय मेलो! तुज्या तोंडांत साखर पडूं! काय बरी खबर घेवन आयला तूं!

थोंटी : थोंटी हांव, थोंटी. तुजो मावशेभाव.

चतुरा : खरेंच?

थोंटी : हय गो. देवाचो सोपूत. हांव खरेंच तुजो मावशेभाव. सख्खो मावशेभाव.

चतुरा : तें म्हणना हांव. म्हजो बापूय खरेंच मेलो?

थोंटी : खरेंच मेलो गो. हय गो. काल काय बरो खाल्ला जेवला. बऽऽरें मारलां. न्हिदला. सकाळीं उठून पळय जाल्यार खंयचेकडेन कांय ना. खलास!

चतुरा : (उमेदीन घोवयाक) हो थोंटी, वळखना हाका हांव पूण हो कितें म्हणटा तें आयकलां?

घोवयो : मर्णाची खबर ती. ती फट जाता?

चतुरा : (उमेदीन) तशें जाल्यार आयज हांव सामकें खोशयेन उमेदीन नाचपी, गावपी, आनंद मनोवपी. म्हाका विकपी बापूय मेलो. काबार जालो! ओ हो! (गावपाक लागता) **किती सांगू मी सांगू कुणाला / आज आनंदी आनंद झाला**. हांव हांगासर केंस सोडून नाचपी पूण थंय ताच्या मड्यार नदर घालपाक येवपी न्हय. थोंटी, तूं म्हजो मावशेभाव म्हणटा खरो पूण हांव

तुका कुस्कूट वळखना. पूण तुवें इतली बरी खबर धाडल्या, हांव तुकां मावशेभाव न्हय सख्खो भाव मानून तुकां हातभर राखी बानपाक तयार आसां. चल, तूं परत चल.

थोंटी : (ताका तरातरांनी खुणायत) चतुरा, ह्या वेळार फाटलें सगळें विसर. कितलोय जाल्यार तो तुजो बापूय.

घोवयो : हय चतुरा थोंटीचें आयक. कितलोय जाल्यार मेला तो तुजो बापूय.

चतुरा : तुकां ताचो इतलो पुळको कित्याक तो जाणां हांव. ताणें तुकां विकलेलें न्हय म्हाका. तेचखातीर तूं ताका सोऱ्याक पैशे दितालो.

घोवयो : विसरपाचें ते आतां.

चतुरा : तूं विसर. हांव विसरपाक ना.

घोवयो : तुकां जाय तें कर. म्हाकाय म्हण तूं म्हज्या दोळ्यांआड गेल्ली नाका. बापूय मेला म्हण तितली सवलत दिली तुकां. नाजाल्यार आयज तुका देवीमुखार प्रमाणाकूच व्हरपाचो आसलों.

चतुरा : आजूनय व्हरूं येता तुज्यान.

घोवयो : नाका. बापायचें सुतक सोपूं दी.

चतुरा : हांव ताचें सुतक लेगीत धरपी न्हय.

(थोंटी आपली खरी वळख घडोवपाचो यत्न करता.)

थोंटी : चतुरा, तुजें आतां चड जालें. काय बरी भावोजीन तुकां वचपाक परवानगी दिल्या. काय बरो हो थोंटी तुकां व्हरपाक आयला. जाल्यार तुकां हे संदीचो फायदो घेवपाची मात अक्कल ना.

चतुरा : कितें? म्हजी अक्कल काडटा? हांव तुजें मुस्कट धरून फोडपाक आसां.

थोंटी : फोड. म्हजें मुस्कट फोडून वडय. पूण फोडचेआदीं तें सारखें नियाळून पळय. आनी लागीं येवन पळय.

(आतां चतुराक समजावणी मेळटा. आतां ती नाटकीपणान वागता.)

चतुरा : (हामेल मारून) म्हज्या भावा, थोंटी रेऽऽ कितल्या तेंपान पळयतां रे तुकां? इतल्या तेंपान मेळ्ळो तो मेळ्ळो, कसली खबर घेवन आयलो रे तूं? (हामेल मारून) म्हज्या दा रेऽऽ ध्यानीमनी नासताना म्हाका कसो सोडून गेलो रेऽऽ

(चतुरामदीं जाल्लो बदल घोवयो चत्रायेन नियाळटा.) ल्हानपणांत तुवें म्हाका आंगा खांदार खेळयलें. कितें कितें म्हण उणें केलें ना. चिमटे, थापटां, धुमके, गाळी, खोंटी! जें कितें केलें तितलेंय अपुरबायेन केलें. तुजेचखातीर म्हाका भांगरासारखो घोव मेळ्ळो. (घोवयो थंयचोच एक तुवालो काडून चतुरेच्या भुजांर पांगुरता.) थोंटीऽऽ आनीक वेळ लावं नाका. केन्नाकाय म्हाका बापायच्या मड्यार नदर घालीन जाल्या. म्हाका घेवन वच. म्हाका घेवन वच.

घोवयो : चल थोंटी, आनीक कळाव लावं नाका. थंय सगळीं वाट पळयता आसतलीं.

थोंटी : भावोजी, तुमी?

घोवयो : तुकां सांगलें न्हय. चतुरेक घेवन वच तूं. सांबाळून.

थोंटी : भावोजी, तूं हुस्को करूं नाका. चतुरेक व्हरपाचें काम म्हजें.

घोवयो : आनी हाडपाचेंय काम तुजेंच.

थोंटी : हय भावोजी. दोनूय कामां हांव ज्यूस्ताज्यूस्त करतां.

चतुरा : चल थोंटी.

(चतुरा आनी थोंटी जड पावलांनी वता. घोवयो तांकां भायरमेरेन सोडपाक वता आनी परतता. आपले भितर उलयता.)

घोवयो : बरें दांड्यान उदक तोडलें म्हण दोन जाता? रगताचे नातें तें रगताचें नातें. आनी आवय आनी बापूय म्हणटा तीं जल्मदात्रीं. आवयचें एक समजूं येता. पूण बापूय? तोच तर सगळ्याचें कारण. बेबदो दा! भोगूं बाबड्याचें! आनीक जगलो जाल्यार अदींमदीं म्हजेकडेन मागून खातलो आसलो. खातलो कसलो! पितलो आसलो!

(इतल्यान भायरसावन बेबदो दा येता. तो बरोच पियेला. लकता. तो घोवयाचेर आकांताचो बेजार जाला.)

दा : घोवयाऽऽ घोवया नालायक मनशा आयज हांव तुकां कसोच, सोडिना.

घोवयो : (अजापान) कोण? बेबदो दां? तूं?

दा : तूं म्हणजे? कोण समजलो तूं? बेबदो दाचें भूत? हांव जितो जागतो बेबदो दा. चतुराचो बापूय आनी तुजो तुजो मांव.

घोवयो : पूण तूं खंय आसलो?

दा : हांव मसणांत आसूं. म्हजें तुकां लागूंना. आनी लक्षांत दवर, हांव तुजेकडेन पैशे मागूंक येवूंना. हांवें आयजसावन सोरो सोडलो. पूण हांव तुकां घोवयाक सोडचोना. हांवें तुकां म्हजी अपुरबायेची धूव दिल्ली, चतुरा.

घोवयो : पूण म्हाका एकूच सांग –

दा : ना. तुजें आयकुचो ना. तिची अशी वाट लावप? काल रातीं हांव तुगेर यो जाल्यार तूं भायर आनी तो कोण आबो भितर. आनी तूं कितें काय म्हणल्यार भायर बसून राखण करता? आनी आयज कितें काय म्हणल्यार–

घोवयो : पूण म्हाका एक सांग–

दा : कितें तें? विचार. विचार.

घोवयो : तूं जितो आसा काय मेला?

दा : मेला! तुजें म्हणणें कितें? मेला हांव? सामको ठार मेलां म्हणून तुवें म्हजे धुवेची अशी वाट लावप? काल कोण आबो जालो. आयज कोण दुसरोच. तुवें म्हजे धुवेक ताचेबरोबर धाडली कशी?

घोवयो : कोणाबरोबर? थोंटीबरोबर?

दा : कोण थोंटी?

घोवयो : तो चतुरेचो मावशेभाव. एका पांयान कुट्टा तो.

दा : खंयच्च्या पांयान?

घोवयो : दाव्या (गोंदळटा) न्हय उजव्या पांयान.

दा : कोण खंयचो मावशेभाव आनी कोण खंयचो थोंटी? चतुरा दाणग्या – दुगण्या भुरग्याबरोबर गेलां.

घोवयो : खंय गेलां?

दा : म्हाका खंय खबर! तुवें धाडल्यां थंय गेल्यां आसतलीं.

घोवयो : हावें धाडिल्लीं तांकां तुज्या मर्णांक. तुज्या मड्यार नदर घालपाक. तूं मेल्लो न्हय.

दा : हांव मेल्लों? केन्ना?

घोवयो : त्या थोंटीन हांगासर येवन तूं मेला म्हण सांगलें.

दा : तो थोंटी न्हय.

घोवयो : तें आतां समजलें आनी तूं मरुंना तेंवूय आतां कळ्ळें. चल म्हजेबरोबर.

दा : खंय?

घोवयो : खंय म्हणजे? तुजे धुवेचे सोदीक. आतां हांव तिका कशीच सोडपी न्हय.

दा : म्हजी तकली परत घुंवपाक लागली.

घोवयो : ती घुंवून घुंवून निखळून पडल्यार लेगीत जाता. म्हजेबरोबर यो. तिका सोदून काडूंया. निद्रादेवीच्या देवळांत व्हरून प्रमाणांक लावंया. जावंदी सोक्षमोक्ष. दूद का दूद – पानी का पानी.

दा : पानी! पानी! पूण म्हाका पिवपाक जाय.

घोवयो : पयलीं निवाडो जावं दी. तुकां सोऱ्यान न्हाणयतां. (दाक ओडीत घेवन वता.)

(काळोख)

देखाव : पांचवो

(आदल्या पोरण्या देवळाचो सुरवातीचो देखाव. आदलेसारखीच निद्रादेवी मखरांत आसा. हातांत खरवत आसा. उब्याउब्यानीच न्हीद काडटा. कांय वेळान गुरव भायर येता. आदल्या सारखेंच एका हातांत पूजा साहित्य जाल्यार दुसऱ्या हाताचे मुठीक पेट्टी विडी आसा. तिचे अर्दीं मर्दीं झुरके मारता. सोरो पियेला. चलतना लकता. पार्श्वभागाचेर पारंपारीक आरतीची धून वा तसलेंच कसलेंतरी वाद्यसंगीत. देवीच्या गळ्यांत फुलांची माळ घालता. कांय वेळान भायरसावन घोवयो चतुराक भरभरीत ओडीत हाडटा. चतुरा सवळें सोबुंये अशे तरेचें न्हेसण न्हेसल्या. तांच्या फाटोफाट बेबदो दा लकत लकत येता.)

घोवयो : (रागान) यो, आतां कशी पळून वता ती पळयतां थोंटी बरोबर.

दा : सोडूं नाका.

घोवयो : आतां देवीमुखार निवाडो. भोग तुज्या कर्माचीं फळां. देवीचे खरवतीन दोन अर्दीं जावन पड. पळोवया कोण वांचोवपाक येता तुकां तो! मधांद, कोळेहुंदीर, कांकणकार, आबो काय थोंटी. सगळे सुद्धां एक वेळार आयल्यार जाता. सगळ्यांक पळोवन घेतां. हांव न्हय, देवी. देवी सगळ्यांक पळोवन घेतली. आतां उलय, तोंड धापलें कित्याक?

(चतुरा खंबीरपणान उबी आसा.)

दा : उलय, उलय. म्हाका बापायक जित्याकूच मारून वडयता!

घोवयो : आतां उलोवपाक तोंड नाका? सगळीं फटींगपणां उकतीं जालीं. आतां घे चिरून खरवतीन. (तापिल्ल्या आवाजान गुरवाक) गुरवाऽऽ बेगीन जावं दी.

(गुरव कुरवेनूच ताका शांत रावपाक सांगता.)

दा : हो असो अवतार जर तुवें गांठ मारिल्ल्या त्या दिसापासून घेतिल्लो जाल्यार ही आयची पाळी तुजेर येवची नासली.

घोवयो : म्हणजे तुका कितें म्हणपाचें आसा? सगळी चूक म्हजी? तुजे धुवेची कसलीच चूक ना? उलय.

दा : (नरमायेन) अशें कोणें म्हणलां? (हेवटेन तेवटेन पळोवन) अशें कोणें म्हणलां?

(तेवटेन गुरव आरत सुरू करता. बाकिचीं साथ करतात. आरत आवाजान देवी जागी जाता. जांबयो दिता.)

देवी : (उलो मारून) गुरवाऽऽ ए गुरवाऽऽ

गुरव : देवी हांव हांगाच आसा.

देवी : केद्दान बोबो मारता?

गुरव : देवी बोबो कसल्यो? आरत ती.

देवी : ती मातशी ल्हवू म्हणपाक जायना?

गुरव : ना देवी.

देवी : कित्याक?

गुरव : तूं न्हिदेंतल्यान उठपाक जाय न्हय?

देवी : (याद करून) दर फावटीं तूं अशेंच सांगता.

गुरव : देवी, दर फावट तूं अशेंच विचारता.

देवी : (वास घेत) दर फावट तुज्या तोंडाक येता ती घाण आतां कशी येना?

गुरव : देवी प्रकार बदलला.

देवी : म्हणजे?

गुरव : म्हणजे घाणूय येना आनी वासूय येता असो प्रकार सुरू

केला.

देवी : हें अशेंय करपाक मेळटा?

गुरव : हय देवी, तुजे कृपेन कितेंय करपाक मेळटा!

देवी : म्हजी कृपा! आनीक कसलो प्रकार बदलला?

गुरव : देवी, गळ्यांतली फुलांची माळ बदलल्या.

देवी : म्हणजे?

गुरव : म्हणजे जांचेर हुमले चडना अशा फुलांची माळ तयार केल्या.

देवी : शाबास!

गुरव : देव बरें करूं तुका देवी!

देवी : कितें?

गुरव : ना, ना. आमी मनशांक म्हणपाचें तें. देवी अशीच कृपा आसची भक्ताचेर.

देवी : हरशीं न्हिदेंतल्यान उठटकच तकली उसळटाली. आयज कपल थंड दिसता.

गुरव : चंदनाचो तिबो लायला देवी कपलाक!

देवी : आयज देवीची इतली लक्तुबाय कित्याक?

गुरव : काम करताना तकली बरी थंड उरपाक जाय न्हय, देखून.

देवी : म्हणजे आयजूय निवेद्य काम जातकूच?

गुरव : हय देवी, म्हजो नाईलाज आसा.

देवी : आसूं, आसूं. सुरू कर. (याद करत) एक सांग,

गुरव : कितें?

देवी : आयज हांव जागृत उरपाक नाका?

गुरव : नाका कशी? आयज अजिबात न्हिदपाक फावना.

देवी : जाल्यार जागृत उरपाखातीर तें खातखुतल्यांच्या पानांचें उदक कित्याक शिंपडावंक ना? तरी म्हणटां आंग कशें खोरजना?

गुरव : माफ कर देवी. खातखुतलेचीं पानां हातालागीं गावलींना आनी तांबयो भरून हाडपाक पाण्ट्यार वचप जालेंना.

देवी	:	हाचो अर्थ आयज म्हाका न्हाण घालूंक ना.
गुरव	:	ना देवी. न्हाण घातलां.
देवी	:	कशें?
गुरव	:	हांव (पिवपाक) वापरतां तेंच चिमटीभर तीर्थ तुजेर शिंपडायलां.
देवी	:	(आंग काडीत) शीस्स!
गुरव	:	विटूं नाका देवी. ताका वास येना. आनी भायल्यान शिंपडल्यार ताचो भितर परीणाम जायना.
देवी	:	तुजीं सगळीं लक्षणां पळयल्यार तुका हांगचो निखळावचो पडटलोसो दिसता.
गुरव	:	(आपले भितर) पळोवया कोण निखळटा तो? (देवीक) चल, निवाड्याक आरंभ कर.
देवी	:	कसलो निवाडो?
गुरव	:	लग्नाची गांठ सारखी बसूंना.
देवी	:	अब्बा! अशें कशें? चल माळ्यार वडयिल्ली तांची दोरयेची गांठ सोदून हाड पळोवया.
गुरव	:	देवी, ते गांठीचें कितें जालां जाणां?
देवी	:	गांठीचें आनीक कितें जातलें? चल, हाड म्हणटा न्हय.
गुरव	:	देवी, गांठ माळ्यार ना.
देवी	:	मागीर खंय आसा?
गुरव	:	त्या हुंदराक खबर!
देवी	:	खंयच्या हुंदराक?
गुरव	:	माळ्यावयल्या हुंदराक. ताणेंच ती गांठ ना केल्या.
देवी	:	माळ्यार हुंदीर जाल्या?
गुरव	:	हय.
देवी	:	त्या गणपतीक वात लावपाची.
गुरव	:	लायली. पूण लायिल्ली वात तो हुंदीरूच व्हरता.
देवी	:	अशें कर. तांगेली सोड. आनीक कोणाचीय एक गांठ घेवन

यो. तांचेहुजीर ती दाखोवपाक नाका?

गुरव : तेंवूय शक्य ना देवी.

देवी : कित्याक?

गुरव : त्या हुंदरान सगळ्यो गांठी फारायल्या. आनी ते एक आनी दोन न्हय. शेकड्यांनी आसात. फक्त गांठीकूच न्हय. आतां ते वस्त्रांकूय लागपाचे आसात. देवी, तांचो बंदोबस्त जावपाक जाय.

देवी : तें मागीर पळोवया. पयलीं निवाडो. आपय तांकां मुखार आनी सुरू कर.

गुरव : (घोवयो आनी चतुराक) येयात, अशीं देवी मुखार येयात. न्हावन-धुवन बी आयल्याच आसतलीं.

(दोगांय मानो हालोवन हयकार दितात.)

दा : (फाटोफाट बेबदो दा येता.) सारखो जावं दी निवाडो, सारखो जावं दी.

देवी : (वास घेत) गुरवा, तूं पिला त्या तिर्थाक घाण येना म्हणटालो मरे. पूण आतां कशी येता तर?

गुरव : (लक्षांत येवन) देवी, ती म्हज्या तोंडाची न्हय. (बेबदो दाक) एऽऽ फाटीं सर. देवीक तुज्या तोंडाची घाण येता.

(बेबदो दा फाटीं सरता.)

गुरव : (दोगांकूय) देवीची प्रार्थना करात.

(दोगांय दोळे मेटून प्रार्थना करतात.)

गुरव : हांगा ह्याच पवित्र थळांत देवीन आपूण साक्षी रावन तुमची दोगांयची लग्नगांठ मारिल्ली. देवी जागृत दैवत आसा. तिका फटोवपाक जायना. तुमी दोगांय एकामेकाक विश्वासी रावतलीं असो तुमी सोपूत घेतिल्लो. मागीर हें अशें कशें जालें? पयलीं कोण उलयता?

(दोगांय वांगडाच मुखार सरतात. तेवटेन बेबदो दा आपूणय मुखार सरता आनी मागीर आपूणच फाटीं सरता.)

घोवयो : फाटले खेपूय हांवूच उलयिल्लों.

गुरव : होच न्याय सारखो. फाटीं जशें जालां तशेंच फुडें जावपाक जाय. उलय, तुकां उलोवपाक कट्टोण जाय? नशीब! हुंदरान तो आजून सुतासयत दवरला.

घोवयो : नाका, म्हाका आजून कट्टोणांत उलोवपाक कळना.

गुरव : बरोबर. तातूंत उलयल्यार कट्टीभर निथू जाता. उलय, असोच उलय.

दा : (आपलेभितर) उलय, उलय. फुलय, फुलय.

घोवयो : देवी, ही म्हजी बायल चतुरा, घोवाकडेन प्रामाणीक ना. हिचेकडेन लग्न जायतपासून हांवें हिचेबगर दुसरे बायल मनशेकडेन दाव्या दोळ्यान पळोवंक ना. पूण हिणें मात लग्न जायतसावन परक्याच दादल्याकडेन सांगात जोडला. एक आनी दोन न्हय. कितलेशेच. कोण मदांध, ताच्या गळ्यांत ही पडटा. कोण कोळेहुंदीर, ताच्या आंगार कांबळ ओडटा. कोण कांकणकार ताचे कडल्यान कांकणां चडोवन घेता. कोणांक जाणटेलो आबो करून ताका थुळेता. कोणांक थोंटी करुन ताच्या वांगडा पळून वता. हांव दीस रात जागो रावून हिका राखतां.

दा : (आपलेभितर) सारखो राख. अकलेन राख.

(देवीक लखण येता. गुरवाच्या लक्षांत येता. तो देवीक जागी उरपाखातीर होरायता.)

गुरव : (व्हडल्यान) देवी आयक, तुज्या बाळकाचें म्हणणें आयक. (देवी भानार येता.)

घोवयो : देवी, हांव जागृत रावन हिका राखतां तरी लेगीत ही असले वेवहार करता. देवी, हांव काळजांतल्यान आनी बोंबलेच्या देंठांतल्यान तुजेलागीं मागतां, म्हजे गांठीचो निवाडो कर आनी हिका तुगेले खरवतीन उबी चिरून हिचीं दोन अर्दां कर.

गुरव : कितें करपाचें तें देवी जुस्त करतली. तुकां आनीक कितें

सांगपाचें आसा?

घोवयो : ना.

(गुरव कट्टटोण हाडून चतुराकडेन दीता.)

गुरव : घे, हांव जाणां, तुकां कट्टटोणांतल्यान उलोवपाक कळटा. घे.

चतुरा : नाका.

गुरव : कित्याक?

चतुरा : म्हाका तातूंत उलोवपाक कळटा, पूण देवीक कळना.

गुरव : (अजापान) कितें तूं उलयता तें देवीक आयकूंक येता म्हण खबर आसा न्हय तुकां बाळका?

चतुरा : हय खबर आसा. आनी म्हजें म्हणणें देवीक स्पश्ट बरें कळचें देखून हांव अशें देवीलागीं थेट समोरासमोर उलोवपाक सोदतां.

गुरव : (ल्हवूच देवीक) प्रकरण बरेंच खर आसा.

देवी : हांव जागृत आसा.

गुरव : (चतुराक) सांग, देवी मुखार रावन सांग, घोवान तुजेर केल्ले आरोप तुकां मान्य आसा?

चतुरा : ना. पयली गजाल म्हणल्यार तो घोव न्हय, घोवयो. घोवयो.

दा : (आपलेभितर) हांव तेंच सांगतालों, तूं घोव न्हय, घोवयो. घोवयो.

चतुरा : हावें जाका घोव म्हण स्वीकारला ताचेकडेन हांव प्रामाणीक आसा. हावें कोणा परक्याचो सांगात जोडूंना. हाचे ताचेकडेन नाचरेपणा करपाक हांव चंचला न्हय, हांव चतुरा. म्हजे बुद्धीचो वापर करून हांव जियेल्यां. तेविशीं म्हाका खेद-खंत कांय एक ना.

दा : (आपलेभितर) शाबास! शाबास!

चतुरा : पयली गजाल म्हणल्यार म्हज्या लग्नाचो बाजार केला. म्हाका लग्न करून दिवंक ना. म्हाका एक वस्त कशी विकल्या. असलो

प्रकार म्हाका मान्य ना. आनी देवी, गांठ मारता त्या दिसा मोठ्या विश्वासान हांव तुजेमुखार उबी राविल्ली पूण देवी, निद्रादेवी, तुवें म्हजो विश्वासघात केलो.

गुरव : तूं कोणामुखार उलयता हाचें तुका भान आसा न्हय? देवी कितें न्हीदल्या म्हण समजल्या तूं?

(देवी मखरांतल्यान सकयल येता.)

गुरव : देवी, हें कितें करता?

देवी : तसो प्रसंग आयला म्हणून. (गुरवाक आनी घोवयाक) तुमी कुशीक सरात. हांव पळोलवन घेतां.. (मेळिले संदिचो फायदो घेवन गुरव कुशीक वचून बाटली तोंडाक लायता.)

देवी : सांग बाळक, हांवें तुजो कसो कितें विश्वासघात केलो?

चतुरा : गांठ मारता त्याच दिसा, ह्याच तुज्या देवळांत हांवें तुकां सांगिल्लें, बापायन म्हाका विकलां. म्हजेकडेन लग्न जावपाक सोदपी ह्या घोवयाक हांव वळखपासून ना. ताचेकडेन हांव कशें लग्न जावं? म्हज्या मनांत दुसरोच मनीस आसा.

देवी : अशें तुवें म्हाका सांगिल्लें?

चतुरा : हय देवी, तुजो सोपूत. तशें हांवें सांगिल्लें आनी म्हजी ह्या घोवयाकडेन गांठूय मारूं नाका म्हणून सांगिल्लें. सामकें मनांतलें. कट्टोणांत तोंड घालून. पूण तुवें सारखें आयकनासताना म्हणलें, 'तथास्तु' देवी, हो ह्या बाळकाचो विश्वासघात न्हय?

(देवी अस्वस्थ जाता.)

देवी : बाळक, आतां तुजें म्हणणें कितें?

चतुरा : म्हजी बांदिल्ली गांठ सोड.

देवी : ते गांठीचें आतां सोड. ती शेणली.

चतुरा : कितें?

देवी : हें पळय, ते गांठीचें विसर.

चतुरा : हांवूय तेंच म्हणटां. म्हजी आदली गांठ सोड आनी म्हाका

घोव बदलून दी.

देवी : ना, ना. शक्य ना. हांव फक्त गांठ बांदपाक जाणां. सोडपाक म्हाका कळना.

चतुरा : म्हणजे?

देवी : म्हणजे कितें? गांठ एकदां मारली म्हणजे तुकां त्याच घोवाबरोबर रावचें पडलें.

चतुरा : ताचेबरोबर रावपाक तो घोव न्हय, घोवयो. घोवपणाचें कसलेंच लक्षण ताच्यांत ना. आनी आशिल्लें जाल्यारसुद्धां तो म्हाका नाकाच जावपाचो.

देवी : कारण तुज्या मनांत दुसरो आशिल्लो.

चतुरा : आनी आसा.

देवी : ना. बाळका, हें देवीचें राज्य. तुमचें मनशांचें न्हय. हांगासर देवीक जाय तेंच जातलें. आमचें चुकलांय आसत, पूण ताका देवी म्हणून म्हजो नाईलाज आसा. बाळक, हांव तुकां एक विनंती करता.

चतुरा : देवी, तूं देवी. हांव मनीस. तूं म्हाका आज्ञा कर.

देवी : परिस्थिती तशी उप्रासल्या म्हण तुकां विनंती करतां.

चतुरा : कसली विनंती देवी?

देवी : पळय बाळका, तुजी गांठ ह्या घोवाकडेन चुकून बांदल्या ही गजाल खरी पूण अश्यो चुकून गांठी बांदिल्ली तूं कितें पयलीच अस्तुरी न्हय. मातशी भायर नदर मारून पळय. वाड्यावाड्यार, गांवागांवांत तुकां अश्यो जोडयो दिसतल्यो जांच्यो गांठी चुकून बसल्यात. एकदां बसल्यो त्यो बसल्यो. ताणीं त्यो खंय केन्ना सोडोवपाचो यत्न केला? तीं त्या घोवाकडेन दीस आनी राती सारता काय ना? मागीर तुका मातशें समजून घेवपाक कितें जाता? तुजे आवयन, आज्जेन, पणजेन समजून घेतलें ना? ताणी तडजोड केली ना?

चतुरा : देवी, ही सादी तडजोड न्हय, मन आनी शरीराची आकांताची

मोडतोड. ताणीं अन्याय सहन केलो तो तूं म्हाकाय सहन कर म्हणटा?

देवी : तूं ताका अन्याय कित्याक म्हणटा? नशीब कित्याक म्हणना?

चतुरा : कारण नशीब बदलपाक मेळटा हाचेर म्हजो ठाम विश्वास आसा.

देवी : हांव तुका परत सांगतां, ह्या जल्मांत जें जालें तें जालें. सोसून घे. फुडल्या जल्मांत सारखें नीटायेर घालूंया.

चतुरा : देवी, म्हाका फुडल्या जल्माचें पडूंना. ह्याच जल्माचें पडलां. पुनर्जल्म कोणें पळयला?

देवी : (रागान) म्हणजे तूं म्हजी विनंती आयकुची ना?

चतुरा : ना. तेखातीर म्हाका माफ कर देवी.

देवी : तशें जाल्यार तुकां प्रमाण जावचेंच पडटलें.

चतुरा : हांव तयार आसां.

देवी : (उलो मारुन) गुरवाऽऽ

गुरव : (धडपडत येता.) देवी!

देवी : हे अस्तुरेक प्रमाणाखातीर उबी कर.

गुरव : ती उबीच आसा देवी. (शिटकायत) सारखी उबी राव. (घोवयाकूय) तुंवूय सारखो उबो राव.

दा : (आपले भितर) सारखें जावं दी. पानीका दूद और दूदका पानी.

देवी : गुरवाऽऽ पाटुल्यांत फुलां आसात?

गुरव : आसा देवी. माथेंभर घालूंक जायत इतलीं आसा. आनी तांचेर हुमले नात.

देवी : आनी खरवतीक धार काडल्या?

गुरव : हय देवी. उबी चिरून दोन अर्दां जायत इतली धार आसा. कालूच मेस्तागेर सावन खरवतीचे दात्रे पाजून हाडल्या.

देवी : कर सुरवात गुरवा.

गुरव : (फर्मायत) जा अस्तुरे जा. प्रमाण जा. चारचौगांमुखार, धा जाणांमुखार–निद्रादेवतेमुखार–दिव्यांतले वातीमुखार–सुर्याच्या किर्णामुखार जा–प्रमाण जा.

चतुरा : हय, हांव प्रमाण जातां. चारचौगांमुखार–धा जाणांमुखार – निद्रादेवतेमुखार–दिव्यांतले वातीमुखार–सुर्याच्या किर्णामुखार–प्रमाण जातां.

गुरव : सांग अस्तुरे, ह्या मंदिरांत तुजी गांठ ह्या घोवाकडेन बांदीतपासून तूं ह्या घोवाक सोडून दुसऱ्या कोणांक आफडूंक ना.जांव जागेपणी वा जांव सपनांत लेगीत. आनी तुकांय कोण परको मनीस आफडूंक ना, जांव जागेपणीं जांव सपनांत लेगीत.

दा : (आपले भितर) जा प्रमाण जा. जागेपणी प्रमाण जा, सपनांत प्रमाण जा.

गुरव : जा अस्तुरे, प्रमाण जा.

(इतल्यान भायरसावन एकलो पिसो पिशेपणां करीत येता. हो मदन. पिशाचें संवंग केलां.)

मदन पिसो: जातां, जातां हांव प्रमाण जातां. (बेबदो दाक हात लावन) ह्या बल्लाक हात लावन हांव प्रमाण जातां – हांव सोरो केन्नाच सोडचो ना. (गुरवाक हात लावन) ह्या सवळ्या मनशाक हात लावन हांव प्रमाण जातां – देवळांत केन्नाच पिवंचो ना. (घोवयाक हात लावन) ह्या जागृत मनशाक हात लावन हांव प्रमाण जातां – हांव रातचो केन्नाच न्हिदचो ना. (चतुरेक हात लावन) हे पवित्र अस्तुरेक हात लावन हांव प्रमाण जातां – हांव मोग केन्नाच करचो ना.

(चतुरा ताका धुकलून कुशीक वडयता.) आनी हांव हे देवीमुखार प्रमाण जातां – हांव पिसो न्हय.

गुरव : हो कोण पिसो? हांगा कित्याक आयला? धांवडायात, धांवडायात ताका. ताणे सगळ्यांक हात लायले. सगळ्यांक भश्टीले. आतां सगळ्यांक परत न्हावचें पडटलें. धांवडायात

ताका.

(घोवयो पिश्याक कुशीक धांवडायता.)

दा : (आपलेभितर) धांवडायात, धांवडायात. जे कोण न्हाल्यात ते न्हावंक नाशिल्ल्यांक धांवडायात.

गुरव : देवी, ह्या पिश्यान सगळ्यांक भश्टीले. आतां सगळ्यांनी न्हावचें पडटलें.

देवी : गरज ना. सगळ्यांचेर इल्लें इल्लें तीर्थ फाफूड. (लक्षांत येवन) नाका, नाका. त्या तीर्थाचीय गरज ना. मनां शुद्ध आसतकूच जालें. मुखार सुरू कर.

गुरव : जा अस्तुरे प्रमाण जा. जांव जागेपणीं वा जांव सपनांत लेगीत तूं ह्या घोवाक सोडून दुसऱ्या परक्या मनशाक आफडूंक ना वा परकी मनीस तुका आफडूंक ना, जांव जागेपणीं वा जांव सपनांत लेगीत.

चतुरा : हांव प्रमाण जातां – ह्या घोवाक सोडून आनी आतां म्हाका हो पिसो आफुडला ताका सोडून तिसऱ्या कोणा मनशाक हांव आफडूंक ना, जागेपणीं तशी सपनांत लेगीत. आनी हो म्हजो घोव आनी हो पिसो हे दोग दादले सोडून तिसरो दादलो म्हाका आफडूंक ना, जागेपणीं आनी सपनांत लेगीत.

(देवीच्या लक्षांत सगळो प्रकार येता. पिसो हांसता.)

दा : (आपलेभितर) शाब्बास! शाब्बास!

घोवयो : फट, सामकी फट. चीर देवी चीर तिका. तुजे खरवतीन उबी चीर.

देवी : (उलो मारून) गुरवाऽऽ

गुरव : सांग देवी.

देवी : फुलांचो कुरपणो हाड.

(गुरव फुलांचो कुरपणो घेवन येता.)

घोवयो : कर देवी, फुलांचो कुरपणो तुज्याच माथ्यार रितो कर. निद्रादेवीचो विजय जांव!

(देवी फुलांचो कुरपणो चतुरेच्या माथ्यार रितो करता. पिसो उडयो मारून हांसता. देवी ताका कुरवांनी आपयता.)

देवी : पुरो आतां पिशेपणाचीं संवंगां. आतां तुमची गांठ तुमीच मारात.

गुरव : (आड्डत) देवीऽऽ

देवी : हय. आयच्यान मनशाचे भानगडींत पडप ना. बायलांचे तर नाच ना. गुरवाऽऽ ती खरवत हाड.

गुरव : आतां आनीक खरवत कित्याक देवी?

देवी : गर्भकुडींत बसून हांवच म्हाका चिरून घेता.
(गुरव खरवत हाडून देवीकडेन दिता. देवी खरवत घेवन गर्भकुडींत वता. घोवयो रडत बेबद्या दा म्हऱ्यांत वता.)

दा : हावें तुका सांगूंक नासलें – चतुरा एका उतराची आनी एका तत्वाची म्हणून?
(चतुरा आनी मदन उमेदीन नाचपाक लागतात. पार्श्वभागाचेर शिर्शकगीत.)

अपसमजाचीं विरलीं कुपां
जाचीं ताचीं भरलीं मापां
आपल्या हातांत आपलो फुडार
चतुरा नवगीत गायता॥

जुनीच काणी नव्यान रंगता
प्रेमजिवांची गाथा
ही चतुरंगाची कथा
ही चतुरंगाची कथा

(सोंपता)



पुंडलीक नारायण नायक
हांगेलीं नाटकांची पुस्तकां

रंगवेद : खंड-एक

रंगकाव्य



आस्पावित नाटकां :

1. प्रेमजागोर
2. प्रेमयुद्ध
3. सांगोड
4. कथा अस्तुरी
5. दिव्या दिव्या दिपत्कार



रंगवेद : खंड-दोन

रंगरंजन

आस्पावित नाटकां :

1. तिरंगी चक्राचक्री
2. शिरी रे शिरी! अधांतरी!
3. काळजाची काणी
4. अंता घरा भगवंता
5. धनयां देंवचारा


रंगवेद : खंड-तीन

रंगशिल्प



आस्पावित नाटकां :


1. दिश्टदौलत
2. चित्र स्वयंवर
3. चतुरंगा
4. परिक्रमा
5. कांसुलो





वळवय, फोंडें - गोंय

फोन २३४०२१०



'चतुरंगा' नाटकाची कथा आयच्या न्हय तर खंयच्यातरी फाटल्या काळांत घडटा अशें दाखयलां. तरी कथेकडेन पळोवपाची नदर आयच्या आधुनिक काळांतली आसा. बायलमनशेची बुद्धीमत्ताय, चतुरपणा, कल्पकता आदि गुणांचे दर्शन घडोवपी ही कथा, देव आनी मनशांमदल्या संबंदांचेर खोल विचार करपाक लायता आनी स्त्री-स्वातंत्र्य तशेंच प्रत्येकाच्या लग्न-स्वातंत्र्याच्या हक्काची पाठराखण करता.

बाराव्या शतमानांतल्या 'शुकबहात्तरी' ह्या ग्रंथातले एके चातुर्य कथेचो आदार ह्या नाटकाक लाबला.



ISBN 81-86488-92-8